308

चार मुखां

308
Acc. No:

ಚಾರ್ ಮುಖಾಂ



069
P7KON
VAL

'ಆಶಾವಾದಿ' ಪ್ರಕಾಶನಾಚೆಂ
ತಿಸ್ರೆಂ ಪುಸ್ತಕ್
'आशावादी' प्रकाशनाचें तिसरें पुस्तक

वल्ली क्वाड्रस, अजेकार
ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್, ಅಜೆಕಾರ್

ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ

ಪಾತ್ರೊನಾಂಕ್

ಹ್ಯಾ ಬುಕಾಕ್ ಆರ್ಥಿಕ್ ಸಹಕಾರ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ
ಸರ್ವ್ ಮ್ಹಜಾ ಮಿತ್ರಾಂಕ್
ಹಾಂವ್ ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ ಮ್ಹಣ್ತಾಂ.

1. ಐವನ್ ಡಾಯಸ್ ಆನಿ ಕುಟಾಮ್, (ಆತಾಂ ಕುವೇಯ್ಟ್)
2. ಮೆಕ್ಸಿಮ್ ಡಿ'ಮೆಲ್ಲೊ ಆನಿ ಕುಟಾಮ್ (ಆತಾಂ ಕೆನಡಾ)
3. ಶ್ರೀ ಪಾಸ್ಕಲ್ ಆನಿ ಮೊಂತಿ ಸೋಜ್, ಒಮ್ಜೂರ್
4. ಗಿಬ್ಬ್ಯಾ ಕುಲ್ಯೇಕರ್, (ಆತಾಂ ಕುವೇಯ್ಟ್)

ಚಡ್ತಿಕ್ ವಿವರಾಕ್ ಹೊ ವೆಬ್‌ಸಾಯ್ಟ್ ಪಳೆಯಾ
http: //www.ashawadi.itgo.com/

चार मुखां

ಚಾರ್ ಮುಖಾಂ

वल्ली क्वाड्रस, अजेकार

ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್, ಅಜೆಕಾರ್

2002

*ಮೋಲ್: **60** ರುಪಯ್*

'ಆಶಾವಾದಿ' ಪ್ರಕಾಶನಾಚೆಂ ತಿಸ್ರೆಂ ಪುಸ್ತಕ್

KONKANI BHAS ANI SANSKRIT PRATISTAN (R)
Navarathna Palace
K.S. Rao Road
Mangalore-1
308

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
308

'CHAAR MUKHAAM'

Konkanni Poems by Valley Quadras, Ajekar.

Copy Rights: Ashawadi Publication

Year of Edition: **2002**

G, VAL 'POQ

Price: Rs. **60**

067
P->KON
VAL

Printed at DIVO Konkani weekly

and

Published by Ashawadi Publication

Email id: ashawadi@hotmail.com
website: http: //www.ashawadi.itgo.com

साहितिक परिचय

नाटक

- एदोळच्च चार तुळु/कोंकणी नाटक लिखुन, दिग्दर्शन दीवन, खेळोन दाखयल्यात

साहितिक वावर

- 'काणिक पंद्रांळें' पत्राचो सह संपादक जवन अडेज वर्सां वावर
- 'आमचो युवक' कोंकणी महिन्याळया पत्राचा संपादकी मंडळेंत दोन वर्सां वावर
- 'उदेव' कोंकणी हाफताळयाचा संपादकी मंडळिंत वावर
- 'झर' अजेकार फिरगज पत्राचो संपादक जावन दोन वर्सां वावर
- 'कुल्वारचें दाईज' कुवईटांतल्या बरवप्यांचा एक्ताराचा पईल्या भुकाचो संपादक जावन वावर

बरपां

- एदोळच्च पांच कादंबरियो लिखल्या तांतल्यो चार कादंबरियो फायस जाल्यात
- 120 चाकीई अधिक मटव्यो काणियो कानडी आनी कोंकणी भासेंत लिखल्यात
- आकाशवाणी मंगळूरांत मटव्यो काणियो वाचल्यात
- पन्नासां वयर कोंकणी कविता लिखल्यात
- इंग्लीश कविता [http:www.poetry.com] हांतूं फाईस जाल्यात

भूकारूपीं पाईस जाल्लीं बरपां

- संघर्ष (चोवती कादंवरी) 1991
- आशावादी (मटवी कथा संग्ग्रह) 2002
- चार मुखां (कवितां घोस) 2002

अंकण: • वुळवुळो 1991-1992 (उदेव) • सतां आनी खतां 2002 (राकणो)

- मुखां 2002 (मांय भास कोम) [http://www.maaibhaas.com]

प्रकाशन:

- आशावादी प्रकाशन [http:www.ashawadi.itgo.com]

अनुक्रम

i. अरपण iii

ii. सुरिवलीं दोन उत्रां v

iii. प्रस्तावन viii

1. आशा 1

2. गुलाम पणाची ताड 3

3. एक मागणें 4

4. आयतार सोंत भागेवंतपणीं सांभाळ 5

5. तुंडुराय 7

6. निरभागी आवय 8

7. पोकोळ............ 10

8. फुलां 11

9. हांव कितें करूं 13

10. शिराप पडलेलीं 15

11. बांयतलो माणको 17

12. भिकारी 18

13. खुरसाय ताका खुरसाय 19

14. लेख दी म्हाका 21

15. परकी गांव 22

16. रुदान 23

17. तफावत 25

18. आमची भास महान 26

19. बदलावण 29

20. येम्कुळो 31

21. निदे भाळा निदे 32

22. भुत 33

ಅನುಕ್ರಮ್

i. ಅರ್ಪಣ್ iii
ii. ಸುರ್ವಿಲಿಂ ದೋನ್ ಉತ್ರಾಂ v
iii. ಪ್ರಸ್ತಾವನ್ viii

1. ಆಶಾ 1
2. ಗುಲಾಮ್ ಪಣಾಚಿ ತಾಡ್ 3
3. ಏಕ್ ಮಾಗ್ಣೆಂ 4
4. ಆಯ್ತಾರ್ ಸೋಂತ್ ಭಾಗೆವಂತ್ಪಣಿ ಸಾಂಭಾಳ್ 5
5. ತುಂಡುರಾಯ್ 7
6. ನಿರ್ಭಾಗಿ ಆವಯ್ 8
7. ಪೊಕೊಳ್ 10
8 . ಫುಲಾಂ 11
9 . ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಕರುಂ 13
10. ಶಿರಾಪ್ ಪಡ್ಲೆಲಿಂ 15
11. ಬಾಂಯ್ತ್ಲೊ ಮಾಣ್ಕೊ 17
12. ಭಿಕಾರಿ 18
13. ಖಿರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖಿರ್ಸಾಯ್ 19
14. ಲೇಖ್ ದೀ ಮ್ಹಕಾ 21
15. ಪರ್ಕಿ ಗಾಂವ್ 22
16. ರುದಾನ್ 23
17. ತಫಾವತ್ 25
18. ಆಮ್ಚಿ ಭಾಸ್ ಮಹಾನ್ 26
19. ಬದ್ಲಾವಣ್ 29
20. ಯೆಮ್ಕುಳೊ 31
21. ನಿದೆ ಭಾಳಾ ನಿದೆ 32
22. ಭುತ್ 33

23. कठीण 34
24. चार मुखां 35
25. लजमांडीं 36
26. हीं कोण गाय 37
27. सुरयो 38

23. ಕರೀಣ್ 34
24. ಚಾರ್ ಮುಖಾಂ 35
25. ಲಜ್ಮಾಂಡಿಂ 36
26. ಹಿಂ ಕೋಣ್ ಗಾಯ್ 37
27. ಸುರ್ಯೊ 38

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000067

अरपण

साहित्यांत जितलें स्थान मटव्या काण्यांत आनी कादंवरेक आसा तित्लेंच्च स्थान कवितांकई आसा. "कविता म्हळयार कितें" म्हळें सवाल केल्यार विविध कवी विविध जापी दितीत. कोण सांगात कविता एक सुंदर कल्पन, कोण सांगात एक सामान्य संग्तेक असामान्य रितिन वरणन करचें, भासेचा/प्रासांचा गिरेस्त्कायेन दिंवचें सुंदर वरणन, "अरथाभरित उत्रांची रास घलुन विणचें एक सुंदर कल्पन." पुण मजेलागीं जें कितें कविता म्हळें एक चिंताप आसागी तें हांवें म्हज्या कवितांनीं पिंत्रायलां. यह वुकातला म्हज्या कवितांनी सोधुंक गेल्यार ई प्रासाची सोभाय जांव, उत्रांची गिरेस्त काय जांव तुम्कां झळकोंची ना. वगार विविध नमुन्यांचीं मुखां तुम्कां दिसोंक पुरो. कस्लिगी वोव घालची मुखां ती कान आसच्यांक आयकतेलीं म्हळी म्हजी पात्येणी.

म्हजेलागीं कविता सकत जिवी जिवी आसा म्हणोन भारा वरसाधीं म्हजेसवें रावचो म्हजो मित्र कोंकणेचो फामाद कवी श्री माव्रिस शांतिपुर सांग्तालो. तरी नेत्रा कवितां लिखुंक हांव सक्लों नांगी या म्हाका कवितांचाकी काणयो वरयो लागल्योगी तें हांव नेणां. म्हज्या साहितिक मेटानीं म्हाका मोस्त मित्रानी आपली सम्जोणी वांटुन दिल्या. श्री पंचु वंटवाळ, श्री केविन डि'मेल्लो, श्री माव्रिस शांतिपुर प्रमुख म्हज्या ह्या कविता वाटेर वाट धाखयिल्ल्या पयकी कोंकणेंत्लो आन्येक फामाद कवी श्री मेल्विनाचो हात जरूर आसा. ताची दीश्ट खरिच्च घुगिची आनी म्हज्या कविताचा हर्येका अस्कत कोन्शांक ताणें उज्वाड घाला.

ಅರ್ಪಣ್

ಸಾಹಿತ್ಯಾಂತ್ ಜಿತ್ಲೆಂ ಸ್ಥಾನ್ ಮಟ್ವ್ಯಾ ಕಾಣ್ಯಾಂಕ್ ಆನಿಂ ಕಾದೆಂಬರೆಕ್ ಆಸಾಗಿ ತಿತ್ಲೆಂಚ್ ಸ್ಥಾನ್ ಕವಿತಾಂಕೀ ಆಸಾ. "ಕವಿತಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ" ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸವಾಲ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ವಿವಿಧ್ ಕವಿ ವಿವಿಧ್ ಜಾಪಿ ದಿತಿತ್. ಕೋಣ್ ಸಾಂಗತ್ "ಕವಿತಾ ಏಕ್ ಸುಂದರ್ ಕಲ್ಪನ್", ಕೋಣ್ ಸಾಂಗತ್ " ಏಕ್ ಸಾಮಾನ್ಯ್ ಸಂಗ್ತೆಕ್ ಅಸಾಮಾನ್ಯ್ ರಿತಿನ್ ವರ್ಣನ್ ಕರ್ಚೆಂ", "ಭಾಸೆಚಾ /ಪ್ರಾಸಾಂಚಾ ಗಿರೇಸ್ತ್ ಕಾಯೆನ್ ದಿಂವ್ಚೆ ಸುಂದರ್ ವರ್ಣನ್", "ಆರ್ಥಾ ಭರಿತ್ ಉತ್ರಾಂಚಿ ರಾಸ್ ಘಾಲುನ್ ವಿಣ್ಚೆಂ ಏಕ್ ಸುಂದರ್ ಕಲ್ಪನ್", ಪುಣ್ ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಕವಿತಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ಆಸಾಗೀ ತೆಂ ಹಾಂವೆಂ ಮ್ಹಜಾ ಕವಿತಾಂನಿ ಪಿಂತ್ರಾಯ್ಲಾಂ. ಹ್ಯಾ ಬುಕಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜಾ ಕವಿತಾಂನಿ ಸೊಧುಂಕ್ ಗೆಲ್ಯಾರೀ ಪ್ರಾಸಾಂಚಿ ಸೊಭಾಯ್ ಜಾಂವ್, ಉತ್ರಾಂಚಿ ಗಿರೇಸ್ತ್ ಕಾಯ್ ಜಾಂವ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಝುಳ್ಕೊಂಚಿ ನಾ. ಬಗಾರ್ ವಿವಿಧ್ ನಮುನ್ಯಾಚಿಂ ಮುಖಾಂ ಜಿಂ ದೀಶ್ಟಿ ಆಸ್ಚ್ಯಾಂಕ್ ಜರೂರ್ ದಿಸ್ತೆಲಿ. ಏಕ್ ಅಸಲಿ ಅಸಹಾಯೆಕ್ ಬೊಬ್ ತಿ ಕಾನ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾಂಕ್ ಆಯ್ಕತೆಲಿಂ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಮ್ಹಜಿ ಪಾತ್ಯೆಣಿ.

ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ಕವಿತಾ ರಸ್ಚಿ ಸಕತ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣೊನ್ ಭಾರಾ ವರ್ಸಾಧಿಂ (1990-1992) ಮ್ಹಜೆ ಸವೆಂ ರಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಮ್ಹಜೊ ಮಿತ್ರ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಚೊ ಫಾಮಾದ್ ಕವಿ ಶ್ರೀ ಮಾವ್ರಿಸ್ ಶಾಂತಿಪುರ್ ಸಾಂಗ್ತಾಲೊ. ತರೀ ತೆನ್ನಾ ಕವಿತಾ ಲಿಖುಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಸಕ್ಲೊನಾಂಗೀ ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಕವಿತಾಂಚಾಕೀ ಕಾಣ್ಯೊಂ ಬರ್ಯೊ ದಿಸ್ಲೊಗೀ ತೆಂ ಹಾಂವ್ ನೆಣಾಂ . ಮ್ಹಜಾ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಮೆಟಾಂನಿಂ ಮ್ಹಕಾ ಥೊಡ್ಯಾ ಮಿತ್ರಾಂನಿ ತಾಂಚಿ ಸಮ್ಜೊಣಿ ವಾಂಟುನ್ ಘೆತ್ಲ್ಯಾ. ತಾಂತ್ಲೆ ಶ್ರೀ ಆವಿಲ್ ರಸ್ಕಿನ್ಹಾ, ಶ್ರೀ ಪಂಚು ಬಂಟ್ವಾಳ್. ಶ್ರೀ ಕೆವಿನ್ ಡಿ ಮೆಲ್ಲೊ, ಶ್ರೀ ಮಾವ್ರಿಸ್ ಶಾಂತಿಪುರ್ ಪ್ರಮುಖ್. ಮ್ಹಜಾ ಹ್ಯಾ ಕವಿತಾ ವಾಟೆರ್ ಉಜ್ವಾಡ್ ಘಾಂಕಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಪಯ್ಕಿ ಕೊಂಕ್ಣೆಚೊ ಫಾಮಾದ್ ಕವಿ ಶ್ರೀ ಮೆಲ್ವಿನ್ ಲುದ್ರಿಕ್ ಏಕ್ಲೊ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ತಾಚಿ ಸಾಹಿತಿಕ್ ದೀಶ್ಟಿ ಖರಿಚ್ಚ್ ಘುಗಿಚಿ ಮ್ಹಜಾ ಕವಿತಾಂಚಾ ಚಿಂತ್ನಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಹರ್ಯೆಕಾ ಅಸ್ಕತ್ ಕೊನ್ಯಾಂಕ್ ತಾಣೆಂ ಉಜ್ವಾಡ್ ಘಾಲಾ.

पुण हांगासर हांवें उल्लेख करिजायिच्च जाल्लें एक असलें मुख आसा, ताणें म्हज्या संदिग्दाचा परिगतेंत भरूवश्याचीं दिल्लीं दोन उतरां म्हजे थंय खडपा वाशेन उगेन आजून जिविंच्च उरूल्यांत.

आमच्या समाजेंत वांयत पडलेल्या वागाक म्हजेंय खेलां म्हणोन फातोर मारची रिवाज आजून आसा. तिका रिवाज म्हणोंगी या शिक्शा म्हणोंगी तें म्हका कळाना. पुण फातोर उडयतेल्या पयकी आस्त्यारी, फातोर मारिनास्तां वयर काडूंक, आनी ताका दोन वरीं उत्रां सांगचें साहस करूचे आशावादि आमच्या समाजेंत कित्ले आसात? म्हज्या जिण्येंत एक असलेंच मुख आसा आनी तें उगडापें करूंक म्हाका हाचाकी वरतो आव्कास आसचो ना म्हण म्हजी पात्येणी. आनी त्या मुखाक म्हज्या साहितिक मित्र श्री आंड्रू एल डिकुन्हा - किन्निकंव्ळाक हांव सदां ऋणी जाव्नास्तलों म्हळया उगडासाक ही कृती अरपितां.

वल्ली क्वाड्रस, अजेकार

ಪುಣ್ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಉಲ್ಲೇಖ್ ಕರಿಜಾಯ್‌ಚ್ಚ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಏಕ್ ಗುಪಿತ್ ಮುಖ್ ಆಸಾ, ಜಾಣೆಂ ಮ್ಹಜಾ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ಲ್ಯಾ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚಾ ಏಕಾ ಸಂದಿಗ್ದ್ ಪರಿಗತೆಂತ್ ದಿಲ್ಲಿಂ ಭರ್ವಸಾಚಿಂ ದೋನ್ ಉತ್ರಾಂ ಖಡ್ಪಾ ಭಾಶೆನ್ ಉರೊನ್ ಅಜೂನ್ ಜಿವಿಂಚ್ಚ್ ಉರ್ಲ್ಯಾಂತ್.

ಅಮ್ಚ್ಯಾ ಸಮಾಜೆಂತ್ ಬಾಂಯ್ತ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವಾಗಾಕ್ ಮ್ಹಜೆಂಯ್ ಖೆಲಾಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ಫಾತೊರ್ ಮಾರ್ಚಿ ರಿವಾಜ್ ಆಜೂನ್ ಆಸಾ. ಹಾಕಾ ರಿವಾಜ್ ಮ್ಹಣೊಂ? ಯಾ ಶಿರಾಪ್ ಮ್ಹಣೊಂಗೀ ತೆಂ ಮ್ಹಜಾ ಸಮ್ಜೊಣೆ ಥಾವುನ್ ಭೋವ್ ಪಯ್ಸಿಲೆಂ. ಪುಣ್ ಫಾತೊರ್ ಮಾರ್ತೆಲ್ಯಾಂ ಪಯ್ಕಿ ಆಸ್ಲ್ಯಾರೀ, ಫಾತೊರ್ ಮಾರಿನಾಸ್ತಾಂ ವಯ್ರ್ ಕಾಡುಂಕ್, ಆನಿಂ ತಾಕಾ ದೋನ್ ಬರಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ಸಾಹಸ್ ಕರ್ಚೆ ಆಶಾವಾದಿ ಅಮ್ಚ್ಯಾ ಸಮಾಜೆಂತ್ ಕಿತ್ಲೆ ಆಸಾತ್?. ಮ್ಹಜಾ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಏಕ್ ಅಸಲೆಂಚ್ಚ್ ಮುಖ್ ಆಸಾ ಆನಿಂ ತೆಂ ಮುಖ್ ಉಗ್ಡಾಪೆಂ ಕರುಂಕ್ ಮ್ಹಕಾ ಹಾಚಾಕೀ ವರ್ತೊ ಅವ್ಕಾಸ್ ಆಸ್ಚೊನಾ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಮ್ಹಜಿ ಪಾತ್ಯೆಣಿ. ಆನಿಂ ತ್ಯಾ ಮುಖಾಕ್, ಮ್ಹಜಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಬುಕಾಕ್ (ಚೊವ್ತಿ ಕಾದಂಬರಿ ಸಂಘರ್ಶ್) ಪ್ರಸ್ತಾವನ್ ಬರಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜಾ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಮಿತ್ರ್ ಶ್ರೀ ಆಂಡ್ರು ಎಲ್. ಡಿ ಕುನ್ಹಾ, ಕಿನ್ನಿಕಂಬ್ಳ (ಆತಾಂ ದುಭಾಯ್) ಹಾಕಾ ಹಾಂವ್ ಸದಾಂ ಋಣಿಂ ಜಾವ್ನಾಸ್ತಲೊಂ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಉಗ್ಡಾಸಾಕ್ ಹಿ ಲ್ಹಾನ್ ಕೃತಿ ಅರ್ಪಿತಾಂ.

ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್, ಅಜೆಕಾರ್.

सुरविलीं दोन उत्रां

ह्या सगळया बुकांत हांव ज्या कवितारुपीं उलवनंच आम्नाना परतदोन उत्रां तीं कविता वास्चा आदीं उलंव्क आंव्डेतां. म्हजो कवितांघोस चार मुखां वास्तच्च म्हज्या एका माहीतीक मित्रान सांगलें ह्या पुस्तकाक ‘चार मुखां’ म्हण दवरछाकी ‘चार कुटी’ म्हणोन दवर्लेलें तर सोभ्तें म्हणोन. हांगासार सवाल ‘चार कुटी’ म्हळें नांव आमाजयगी या ‘चार मुटी’ म्हळें आमाजयगी या ‘चार खोटो’ म्हणोन आमाजय म्हळें नंय.

धांव्वा सोंश्याक पळेल्ल्यान आप्ल्या दोंप्रांक मार्न काण्घेल्यार तो धांवचो सोंसो गवता म्हणोन म्हजा वुरग्यापणार कोणेंगी सांगल्लें आयकाल्लें. आनी म्हज्या एका मित्रान तांतूं कित्लें सत आसा तें जाणा जांवक तशें करुंक वचोन आप्लो दोंपोर रग्तान वुडवन आसा. कोंकणी भासेंत कितें आसा? कोंकणी साहित्यांत कितें आसा? हें सवाल करुन हेरभाशे पाटल्यान धांवतेल्या सोंश्याकास्ताचा कोंकणी मायेचा दुरभागी भुरग्यांक हांव या म्हजे तसल्यान कितेंय गिच्चिल्यार तें त्या सोंश्याक रावंवक आपल्या दोंप्राक मारुन काण्गेल्लेपरी नास्तां आनी कितें?

खंचेय भविश्य कोणायचाय हातांत ना. तशें आस्तां कोंकणेक फुडें कसले दीस येतित म्हणोन वोल्मे सांगोंक हांव सक्चोना. पुण कोंकणेचा प्रस्तुत परिगतेक कोण काराण कित्याक आमच्या कोंकणी साहित्याक मोल ना? कोंकणोंत जायते साहिती आसात. मोलाधिक साहित्य ताणीं रचलां, जांचा सारित्याक हेर भासांनी वाखणी चहोग्लिक आसा, स्थान मान आसा. देश विदेशांत सयत कोंकणी साहित्याचो वाव्टो उभो केल्ले साहिती आम्चे मधें जियेवन आसात. तर कोंकणी लोकां मधें तांका मेळाजय जाल्लें स्थान मान कित्याक ना? आमच्या समाजेंत वोवशा साहीतींक स्थान आनी मान मेळाजय तर तांका पयलें मरण येजय. कित्या म्हळयार मेल्ल्या मोशिक भारा शेर दूध म्हण्चांत मात्र आमची त्रत्ती. कोंकणी मायेक असले दीस कोणे वगेल्ले?

चार गांव भंवताच, चार क्लास शिक्तच्च, चार कास जोडताच हें कसलें चिंताप

ಸುರ್ವಿಲಿಂ ದೋನ್ ಉತ್ರಾಂ

ಹ್ಯಾ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಬುಕಾಂತ್ ಹಾಂವ್ ಮ್ಹಜಾ ಕವಿತಾರೂಪಿಂ ಉಲವ್ನ್ಂಚ್ ಆಸ್ತಾನಾ ಪರತ್ ದೋನ್ ಉತ್ರಾಂ ತಿಂ ಕವಿತಾ ವಾಸ್ಚಾ ಆಧಿಂ ಉಲಂವ್ಕ್ ಆಂವ್ವೆತಾಂ. ಮ್ಹಜೊ ಕವಿತಾಂಘೊಸ್ 'ಚಾರ್ ಮುಖಾಂ' ವಾಸ್ತಚ್ಚ್ ಮ್ಹಜಾ ಏಕಾ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಮಿತ್ರಾನ್ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ ಹ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಕ್ 'ಚಾರ್ ಮುಖಾಂ' ಮ್ಹಣ್ ದವರ್ಚ್ಯಾಕೀ 'ಚಾರ್ ಕುಟಿ' ಮ್ಹಣೊನ್ ದವರ್ಲೆಲೆಂ ತರ್ ಸೊಭ್ತೆಂ ಮ್ಹಣೊನ್. ಹಾಂಗಾಸರ್ ಸವಾಲ್ 'ಚಾರ್ ಕುಟಿ' ಮ್ಹಳ್ಯೆಂ ನಾಂವ್ ಆಸಾಜಯ್‌ಗೀ? ಯಾ 'ಚಾರ್ ಮುಟಿ' ಮ್ಹಳ್ಯೆಂ ಆಸಾಜಯ್‌ಗೀ ಯಾ ಚಾರ್ ಖೊಟೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ಆಸಾಜಯ್ ಮ್ಹಳ್ಯೆಂ ನಂಯ್.

ಧಾಂವ್ಚಾ ಸೊಂಶ್ಯಾಕ್ ಪಳೆಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ದೊಂಪ್ರಾಂಕ್ ಮಾರ್ನ್ ಕಾಣ್ಫೆಲ್ಯಾರ್ ತೊ ಧಾಂವ್ಚೊ ಸೊಂಸೊ ರಾವ್ತಾ ಮ್ಹಣೊನ್ ಮ್ಹಜಾ ಬುರ್ಗ್ಯಾಪಣಾರ್ ಕೊಣೇಂಗೀ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ಆಯ್ಕಾಲ್ಲೆಂ. ಆನಿಂ ಮ್ಹಜಾ ಏಕಾ ಮಿತ್ರಾನ್ ತಾಂತುಂ ಕಿತ್ಲೆಂ ಸತ್ ಆಸಾ ತೆಂ ಜಾಣಾ ಜಾಂವ್ಕ್ ತಶೆಂ ಕರುಂಕ್ ವಚೊನ್ ಆಪ್ಲೊ ದೊಂಪೊರ್ ರಗ್ತಾನ್ ಬುಡವ್ನ್ ಕಾಣ್ಗೆಲ್ಲೊ ಆಸಾ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಸೆಂತ್ ಕಿತೆಂ ಆಸಾ? ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯಾಂತ್ ಕಿತೆಂ ಆಸಾ? ಹೆಂ ಸವಾಲ್ ಕರ್ನ್ ಹೆರ್ ಭಾಶೇ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಧಾಂವ್ತೆಲ್ಯಾ ಸೊಂಶ್ಯಾಕಾಸ್ತಾಚಾ ಕೊಂಕ್ಣಿಮಾಯೆಚಾ ದುರ್ಭಾಗಿ ಬುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಯಾ ಮ್ಹಜೆತಸಲ್ಯಾನ್ ಕಿತೆಂಯ್ ಗಿಚ್ಚೆಲ್ಯಾರ್ ತೆಂ ತ್ಯಾ ಸೊಂಶ್ಯಾಕ್ ರಾವಂವ್ಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ದೊಂಪ್ರಾಕ್ ಮಾರ್ನ್ ಕಾಣ್ಗೆಲ್ಲೆಪರಿಂ ನಾಸ್ತಾಂ ಆನಿಂ ಕಿತೆಂ?

ಖಂಚೇಯ್ ಭವಿಶ್ಯ್ ಕೊಣಾಯ್ಚ್ಯಾಯ್ ಹಾತಾಂತ್ ನಾ. ತಶೆಂ ಆಸ್ತಾಂ ಕೊಂಕ್ಣೆಕ್ ಫುಡೆಂ ಕಸಲೆ ದೀಸ್ ಯೆತಿತ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಬೊಲ್ಮ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಸಕ್ಚೊನಾ. ಪುಣ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಚಾ ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಪರಿಗತೆಕ್ ಕೋಣ್ ಕಾರಾಣ್? ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯಾಕ್ ಮೋಲ್ ನಾ ?ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಜಾಯ್ತೆ ಸಾಹಿತಿ ಆಸಾತ್. ಮೊಲಾಧಿಕ್ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ತಾಣಿಂ ರಚ್ಲಾಂ. ಜಾಂಚಾ ಸಾಹಿತ್ಯಾಕ್ ಹೆರ್ ಭಾಶಾಂನಿ ವಾಖಣ್ಣೆಂ ಹೊಗ್ಳಿಕ್ ಆಸಾ. ತರ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕಾಂ ಮಧೆಂ ತಾಂಕಾ ಮೆಳಾಜಯ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಸ್ಥಾನ್ ಮಾನ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ನಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಮಾಜೆಂತ್ ಬೋವ್ಶ್ಯಾ ಸಾಹಿತಿಂಕ್ ಸ್ಥಾನ್ ಆನಿಂ ಮಾನ್ ಮೆಳಾಜಯ್ ತರ್ ತಾಂಕಾ ಪಯ್ಲೆಂ ಮರಣ್ ಯೇಜಯ್. ಕಿತ್ಯಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಮೆಲ್ಲ್ಯಾ ಮೊಶಿಕ್ ಭಾರಾ ಶೆರ್ ದೂದ್ ಮ್ಹಣ್ಚಾಂತ್ ಮಾತ್ರ್ ಆಮ್ಚಿ ತೃಪ್ತಿ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮಾಯೆಕ್ ಅಸಲೆ ದೀಸ್ ಕೊಣೆ ಬಗೆಲ್ಲೆ?

ಚಾರ್ ಗಾಂವ್ ಭಂವ್ತಚ್ಚ್, ಚಾರ್ ಕ್ಲಾಸ್ ಶಿಕ್ತಚ್ಚ್, ಚಾರ್ ಕಾಸ್ ಜೊಡ್ತಚ್ಚ್ ಹೆಂ ಕಸಲೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ನಾಡ್ತಾ? ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಜರ್ತರ್ ಹರ್ಯೆಕ್ಲೊ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಭಾಶೆಕ್ ವಿಶ್ವಾಸಿ

नाडूता. कोंकणेंत जर्तर हरयेक्लो आपल्या भाशेक विश्वासी गवल्लो तर कोंकणी मत्रां आपलो दीस्पडतो ग्रास जोडूंक इतलीं वहाडतात कोंकणी कार्यीं चलोंक कित्याक इल्ले कश्ट आजकाल सगळयानी एकच्च उलवणें आयकोंक मेळता वेळ पावाना. आनी विशेप संगत खंचिगी म्हळयार आयचा काळार कोंकणेंत प्रकट जांव्चा पत्रांची नांवां विचारल्यार खंडित जावुन तीस ठक्के लोकांक थोडिं पत्रां कोंकणेंत आसात म्हळळें कळितच्च आस्चेंना. हें सांगोंकी आमकां लज आस्थीं ना. मतिंत कारणां आस्येंत.

तरी कोंकणी वाव्र करतेल्यांनी धयर सांडुंक ना. कोंकणी लोकां खातिर आज काल वेव सायटा मुखात्र आफिसांतकाम करतेल्यांक मयत वोमुल्लेकडेच्च इल्लो वेळ मेळयार कोंकणी भासेविश्यांत, कोंकणी कार्याविश्यांत जाण जाव्येत. पुण चिल्लो वेळ काडचो गर्जेंचो.

कोंकणेंत वाचपी उणे जाल्यात तरी कोंकणेंत पुस्तकां प्रकट जावनंच आसात आनी फुडेंय तीं प्रकट जावनंच उरोंदी म्हळी म्हजी आशा.

पोटाचा जोडी खातिर मांय गांव सांडुन सात दरयां पयस येवन घर कामांत काम केल्यारी तांचा काळजांत आसचो कोंकणी मोग हांवें कुवेयटांत देखलो. सूट वूट घाल्न कामाक येतेल्यांच्या हातांनी कोंकणी पत्र आसल्यार तांकां लज आनी एका थाराचें उणेंपण भोगता जावयेत. पुण हापत्यांत रजेचो एक दीस मेळयारी चुकानास्तां कोंकणी पत्रां सोधुन वेचें आनी मोलाक घेवन तीं वास्वें चडावत घर कामेल्यांनी तांचो हो मोग पळेताना निजायकी तसल्या भुरग्यांक जल्मायिल्ल्या कोंकणी मायेन निजायकी संतोस पावाजय. गर्जे खातिर या मरजेखातिर खंचीय पत्रां वूक वाचा पुण कोंकणेक केंदिंकच आपल्या वापायचा दुसरया भायलेपरी लेखिनाकात. आपल्या वळवळचा आवयक मांडुन तिचे मुखारच्च कोणाचागी आवयक आपल्या उस्क्यार वसायतेल्यांक हीं 'चार मुखां' या 'चार कुटी' या 'चार मुटी' या 'चार खोटो' कितेंय करूं सक्तित? उण्यार उणें तांचा दोळयांक मांडूलेली साय काडूंक पुणीं?

ರಾವ್‌ಲ್ಲೊ ತರ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪತ್ರಾಂ ಆಪ್ಲೊ ದೀಸ್ಪಡ್ಲೊ ಗ್ರಾಸ್ ಜೊಡುಂಕ್ ಇತ್ಲಿಂ ವದ್ಡಾಡ್ಡಾತ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾರ್ಯಿಂ ಚಲೊಂಕ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಇತ್ಲೆ ಕಶ್ಟ್? ಅಜ್‌ಕಾಲ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾನೀ ಏಕ್‌ಚ್ಟ್ ಉಲವ್ಣಂ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾ ವೇಳ್ ಪಾವಾನಾ .ಆನಿಂ ವಿಶೇಷ್ ಸಂಗತ್ ಖಂಚಿಗೀ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಆಯ್ಚಾ ಕಾಳಾರ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಫಾಯ್ಸ್ ಜಾಂವ್ಚಾ ಪತ್ರಾಂಚಿಂ ನಾಂವಾಂ ವಿಚಾರ್ಲ್ಯಾರ್ ಖಂಡಿತ್ ಜಾವುನ್ ತೀಸ್ ಠಕ್ಕೆ ಲೊಕಾಂಕ್ ತೊಡಿಂ ಪತ್ರಾಂ ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಆಸಾತ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಕಳಿತ್‌ಚ್ಟ್ ಆಸ್ಚೆಂನಾ. ಹೆಂ ಸಾಂಗೊಂಕೀ ಆಮ್ಕಾಂ ಲಜ್ ಆಸ್ಚಿನಾ ಬಗಾರ್ ತೊಂಡಾಂತ್ ಹಾಸೊ ಆಸ್ತಿತ್, ಜಿಬಾಂನಿ ನಿಭಾಂ ಆಸ್ತಿತ್ ಮತಿಂತ್ ಕಾರಣಾಂ ಆಸ್ಯೆತ್

ತರೀ ಕೊಂಕ್ಣಿ ವಾವ್ರ್ ಕರ್ತೆಲ್ಯಾಂನಿ ಧಯ್ರ್ ಸಾಂಡುಂಕ್ ನಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕಾಂ ಖಾತಿರ್ ಆಜ್ ಕಾಲ್ ವೆಬ್ ಸಾಯ್ಟಾ ಮುಖಾಂತ್ರ್ ಆಫಿಸಾಂತ್ ಕಾಮ್ ಕರ್ತೆಕ್ಯಾಂಕ್ ಸಯ್ತ್ ಬಸ್‌ಲ್ಲೆಕಡೆಚ್ಟ್ ಇಲ್ಲೊ ವೇಳ್ ಮೆಳ್ಳ್ಯಾರ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾರ್ಯಾಂವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಜಾಣಾ ಜಾವ್ಯೆತ್ ಪುಣ್ ಇಲ್ಲೊ ವೇಳ್ ಕಾಡ್ಚೊ ಗರ್ಜೆಚೊ.

ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ವಾಚ್ಪಿ ಉಣೆ ಜಾಲ್ಯಾತ್ ತರೀ ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಪುಸ್ತಕಾಂ ಫಾಯ್ಸ್ ಜಾವ್ಞಂಚ್ ಆಸಾತ್ ಆನಿಂ ಫುಡೆಂಯ್ ತಿಂ ಫಾಯ್ಸ್ ಜಾವ್ಞಂಚ್ ಉರೊಂದಿ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಮ್ಹಜಿ ಆಶಾ. ಪೊಟಾಚಾ ಜೊಡಿಖಾತಿರ್ ಮಾಂಯ್ಗಾಂವ್ ಸಾಂಡುನ್ ಸಾತ್ ದರ್ಯಾಂ ಪಯ್ಸ್ ಯೇವ್ನ್ ಘರ್ ಕಾಮಾಂತ್ ಕಾಮ್ ಕೆಲ್ಯಾರೀ ತಾಂಚಾ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಆಸ್ಚೊ ಮೋಗ್ ಹಾವೆಂ ಕುವೇಯ್ಟಾಂತ್ ದೆಖ್ಲೊ ಸೂಟ್ ಬೂಟ್ ಘಾಲ್ನ್ ಕಾಮಾಕ್ ಯೆತೆಲ್ಯಾಂಚಾ ಹಾತಾಂನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪತ್ರ್ ಆಸ್ಲ್ಯಾರ್ ತಾಂಕಾ ಲಜ್ ಆನಿಂ ಏಕಾ ಥರಾಚೆಂ ಉಣೆಂಪಣ್ ಭೊಗ್ತಾ ಜಾವ್ಯೆತ್ ಪುಣ್ ಹಾಪ್ತ್ಯಾಂತ್ ರಜೆಚೊ ಏಕ್ ದೀಸ್ ಮೆಳ್ಳ್ಯಾರೀ ಚುಕನಾಸ್ತಾಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪತ್ರಾಂ ಸೊಧುನ್ ವೆಚೆಂ ಆನಿಂ ಮೊಲಾಕ್ ಘೆವ್ನ್ ತಿಂ ವಾಸ್ಚೆಂ ಚಡಾವತ್ ಘರ್ ಕಾಮೆಲ್ಯಾಂನಿ ತಾಂಚೊ ಹೊ ಮೋಗ್ ಪಳೆತಾನಾ ನಿಜಾಯ್ಕೀ ತಸಲ್ಯಾ ಬುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಜಲ್ಮ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮಾಯೆನ್ ನಿಜಾಯ್ಕೀ ಸಂತೊಸ್ ಪಾವಾಜಯ್ ಗರ್ಜೆ ಖಾತಿರ್ ಯಾ ಮರ್ಜೆಖಾತಿರ್ ಖಂಚೀಯ್ ಪತ್ರಾಂ ಬೂಕ್ ವಾಚಾ ಪುಣ್ ಕೊಂಕ್ಣಿಕ್ ಕೆದಿಂಕ್‌ಚ್ಟ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಚಾ ದುಸ್ರ್ಯಾ ಭಾಯ್ಲೆಪರಿಂ ಲೆಖಿನಾಕಾತ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ವಳ್ವಳ್ಚಾ ಆವಯ್ಕ್ ಸಾಂಡುನ್ ತಿಚೆ ಮುಖಾರಚ್ಟ್ ಕೊಣಾಚಾಗೀ ಆವಯ್ಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಉಸ್ಕ್ಯಾರ್ ಬಸಯ್ತೆಲ್ಯಾಂಕ್ ಹಿಂ 'ಚಾರ್ ಮುಖಾಂ' ಯಾ 'ಚಾರ್ ಕುಟಿ' ಯಾ 'ಚಾರ್ ಮುಟಿ' ಯಾ 'ಚಾರ್ ಖೊಟೊ' ಕಿತೆಂಯ್ ಕರುಂಕ್ ಸಕ್ತಿತ್? ಉಣ್ಯಾರ್ ತಾಣೆಂ ತಾಂಚಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಮಾಂಡ್ಲೆಲಿ ಸಾಯ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಪುಣೀಂ? ಹಾಂವೆಂ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಸುರ್ವಾತ್ ಕರ್ನ್ ಏದೊಳ್‌ಚ್ಟ್ ಪಂದ್ರಾ ವರ್ಸಾಂ

हांवें माहितिक वावर मुरवात करून एदोळच्च पंद्रा वर्मा उत्रालीं. ह्या पंद्रा वर्मानीं पयलेपावटीं हो कवितांघोस प्रकट करुंक उर्भा आनी धयर मेळळें आनी हाका प्रत्यक्शा आनी परोक्शा रितिनी सहकार आनी धयर दिल्ल्या मग्वांचो उपकार आटयतां. कविताशेतांत ह्या म्हज्या पयल्या पुस्तकाक प्रस्तावान वरयिल्ल्या मित्र श्री मेल्विन लुद्रिकाक, तशेंच ह्या वुकाचा प्रकटणेचें काम सोभीत रितिन करुन दिल्ल्या मित्र श्री लाग्न्स कुवेल्लो. आनी ह्या वुकाक आर्थीकमजत दिल्ल्या म्हज्या मोगाच्या मित्रांचो हांव काळजा थावुन उपकार आटयतां.

सदां मायामोगाखाल

वल्ली क्वाड्रस, अजेकार

ಪಯ್ಲೆಪಾವ್ಟಿಂ ಹೊ ಕವಿತಾಂಘೊಸ್ ಪ್ರಕಟ್ ಕರುಂಕ್ ಉರ್ಭಾ ಆನಿಂ ಧಯ್ರ್ ಮೆಳ್ಳೆಂ ಆನಿಂ ಹಾಕಾ ಪ್ರತ್ಯಕ್ಷ್ ಆನಿ ಪರೋಕ್ಷ್ ರಿತಿನಿಂ ಸಹಕಾರ್ ಆನಿಂ ಧಯ್ರ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸರ್ವಾಂಚೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಆಟಯ್ತಾಂ ಕವಿತಾಶೆತಾಂತ್ ಹ್ಯಾ ಮ್ಹಜಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಕ್ ಪ್ರಸ್ತಾವನ್ ಬರಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮಿತ್ರ್ ಶ್ರೀ ಮೆಲ್ವಿನ್ ಲುದ್ರಿಕಾಕ್ ತಶೆಂಚ್ ಹ್ಯಾ ಬುಕಾಚಾ ಪ್ರಕಟ್ಣೆಚೆಂ ಕಾಮ್ ಸೊಭೀತ್ತ್ ರಿತಿನ್ ಕರ್ನ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಶ್ರೀ ಲೋರೆನ್ಸ್ ಕುವೆಲ್ಲೊ, ಆನಿಂ ಹ್ಯಾ ಬುಕಾಕ್ ಆರ್ಥಿಕ್ ಮಜತ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜಾ ಮೊಗಾಚಾ ಮಿತ್ರಾಂಚೊ ಹಾಂವ್ ಕಾಳ್ಜಾ ಥಾವುನ್ ಉಪ್ಕಾರ್ ಆಟಯ್ತಾಂ

ಸದಾಂ ಮಾಯಾಮೊಗಾಖಾಲ್

ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್ ಅಜೆಕಾರ್.

कसायाची कालस पियेंवक वोव्लिग दिंवचो कवी

कवितेचा कसायाची कालस हातांत धरन, दाका-गेसाची गोडसाण चाकोंक येया म्हणोन आसल्ल्या भोव थोड्या वोवळयांक वोव्लिग दिंवचें धयर कोणाक आसा? कोणाकय ना आसों, पुण पयशिल्या कुवेयटांत गावोन जाल्यारई कवी वल्ली क्वाड्रसान असलें एक साहस हातीं घेतलां.

कविता, कसायाची कालस म्हणोन हांवें आपयजे जाल्यार ताचे पाटल्यान हांवें येदोळ नांग्रावन आयिल्लें कवितेचें शेत, वोंपल्लो भियाळो आनी तांल्यान तकली वयर करन येंवच्या गोंपियांक भुरगापणार मरणाक वेंगीजय जाल्ली गतच गोवाय. कविता वाच्ची या शिकची म्हळयार एका विग्यान ल्याबाभितर पारव्याचें पोट चिरच्या तित्लें कठीण म्हण चिंतचे धागळ आसात आनी तसल्यांक फटव्न 'आपुण गोडसाण दितां म्हण सांगच्या धयराक हांवें कितें म्हणाजे?

कविता शेताची ही परिगत आयची, कालची न्हय. शेक्ड्यां शेक्ड्यां आदली. इतलें कठिणाये मधेंय आजून कविता वांचोन उरल्या. भोव तोड्यांनी भोव मोगान उंचल्या थरान कवितेचो मोग केला, तिचो पोस केला. कोंकणिंत तशें मोग करुंक, पोस करुंक आयिल्ल्यां पयकी कवी वल्ली क्वाड्रस एक्लो.

ताचें फुडलद पुस्थक 'चार मुखां' कानडी तशें नागरी लिपिंनी आतां तुमच्या हातांनी आसा. कवितावाटेर ताचीं पावलां परनी न्हय. आयलेवारचीं पूण तीं ताची वाट पळेताना ह्या वाटेर तो सुशेगात चल्ला म्हळें झळकाता.

तशें चमकाताना वग्लेचा भंवारांतल्या बोंडांनी वारयार पस्रांव्चें बरयांत्लें बरें तो आरांव्क सकला आनी तांकां मोळुन इमाजिंचें रुप दिंवक सकला म्हळें सुस्थता.

वाल्लीचा कवितेचा पांवड्याक साण्याक धरचें काम हांव करीना. बदलाक ताणे रुता

ಕಸಾಯಾಚಿ ಕಾಲ್ಸ್ ಪಿಯೆಂವ್ಕ್ ವೊವ್ವಿಗ್ ದಿಂವ್ಚೊ ಕವಿ

ಕವಿತಾಚ್ಯಾ ಕಸಾಯಾಚಿ ಕಾಲ್ಸ್ ಹಾತಾಂತ್ ಧರುನ್, ದಾಕಾಂ ರೊಸಾಚಿ ಗೊಡ್ಸಾಣ್ ಚಾಕೊಂಕ್ ಯೆಯಾ ಮ್ಹಣೊನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಭೋವ್ ತೊಡ್ಯಾ ವೊವ್ಳ್ಯಾಂಕ್ ವೊವ್ವಿಗ್ ದಿಂವ್ಚೆಂ ಧ್ಯೆರ್ ಕೊಣಾಕ್ ಆಸಾ? ಕೊಣಾಕ್‌ಯ್ ನಾ ಆಸೊಂ, ಪುಣ್ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಕುವೇಯ್ಟಾಂತ್ ರಾವೊನ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್‌ಯ್ ಕವಿ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾನ್ ಅಸಲೆಂ ಏಕ್ ಸಾಹಸ್ ಹಾತಿಂ ಘೆತ್ಲಾಂ.

ಕವಿತಾ, ಕಸಾಯಾಚಿ ಕಾಲ್ಸ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಹಾಂವೆಂ ಆಪಯ್ಜೆ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ತಾಚೆ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಹಾಂವೆಂ ಯೆದೊಳ್ ನಾಂಗ್ರಾವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ಕವಿತೆಚೆಂ ಶೆತ್, ವೊಂಪ್‌ಲ್ಲೊ, ಬಿಯಾಳೊ ಆನಿ ತಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ತಕ್ಲಿ ವಯ್ರ್ ಕರ್‍ನ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ರೊಂಪಿಯಾಂಕ್ ಭುರ್ಗ್ಯಪಣಾರ್ ಮರ್‍ನಾಕ್ ವೆಂಗಾಜಾಯ್ ಜಾಲ್ಲಿ ಗತ್‌ಚ್ ಗೊವಾಯ್. ಕವಿತಾ ವಾಚ್ಚಿ ಯಾ ಶಿಕ್ಚಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಏಕಾ ವಿಗ್ಯಾನ್ ಲ್ಯಾಬಾಭಿತರಚ್ ಪಾರ್‍ವ್ಯಾಚೆಂ ಪೋಟ್ ಚಿರ್‍ಚ್ಯಾ ತಿತ್ಲೆಂ ಕಠಿಣ್ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತಲೆ ಧಾರಾಳ್ ಆಸಾತ್ ಆನಿ ತಸಲ್ಯಾಂಕ್ ಘಟವ್ನ್ 'ಆಪುಣ್ ಗೊಡ್ಸಾಣ್ ದಿತಾಂ' ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗ್ಚ್ಯಾ ಧಯ್ರಾಕ್ ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣೊಂ?

ಕವಿತಾ ಶೆತಾಚಿ ಹಿ ಪರಿಗತ್ ಆಯ್ಚಿ, ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಂ ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಂ ಆದ್ಲಿ. ಇತ್ಲ್ಯಾ ಕಠಿಣಾಯೆ ಮಧೆಂಯ್ ಆಜೂನ್ ಕವಿತಾ ವಾಂಚೊನ್ ಉರ್‍ಲ್ಯಾ. ಭೋವ್ ಥೊಡ್ಯಾಂನಿ ಬೋವ್ ಮೋಗಾನ್, ಉಂಚ್ಲ್ಯಾ ಥರಾನ್ ಕವಿತೆಚೊ ಮೋಗ್ ಕೆಲಾ, ತಿಚೊ ಪೋಸ್ ಕೆಲಾ. ಕೊಂಕಣಿಂತ್ ತಶೆಂ ಮೋಗ್ ಕರುಂಕ್, ಪೋಸ್ ಕರುಂಕ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾಂ ಪಯ್ಕಿ ಕವಿ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್ ಏಕ್ಲೊ.

ತಾಚೆಂ ಪುಡ್ಲದ್ ಪುಸ್ತಕ್ 'ಚಾರ್ ಮುಖಾಂ' ಕಾನಡಿ ತಶೆಂ ನಾಗರಿ ಲಿಪಿಂನಿ ಆತಾಂ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂನಿ ಆಸಾ. ಕವಿತಾವಾಟೆರ್ ತಾಚಿಂ ಪಾವ್ಲಾಂ ಪರ್ನಿಂ ನ್ಹಂಯ್. ಆಯ್ಲಿಂ ವಾರ್‍ಚಿಂ. ಪುಣ್ ತಿ ತಾಚಿ ವಾಟ್ ಪಳೆತಾನಾ ಹ್ಯೆ ವಾಟೆರ್ ತೊ ಸುಶೆಗಾತ್ ಚಲ್ಲಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ರ್‍ಝುಳ್ಕತಾ. ತಶೆಂ ಚಮ್ಕತಾನಾ ಬಗ್ಲೆಚ್ಯಾ ಭೊಂವಾರಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಬೊಂಡಾಂನಿ ವಾರ್‍ಯಾರ್ ಪಸ್ರಾಂವ್ಚೆಂ

केल्ल्ये वाटेर पासायो मारुंक येतेल्या मोगिंक सुवाधाचीं तोडीं वोळीं वांटचें प्रतन करतां:

कवी कोंकणिच्या मोगान तोवला. तो तोवुन खाली जांवच्या आदीं खंय तोडेकडे रगान आनी खंय तोडेकडे मोगान धागळ सांगोंक आशेता. ताची कविता 'एक मागणें' भायलें देकिक एक दिस्ता तर वाचून पळयताना एकेकल्याक एकेक इमाज झळकली तर नवाल ना. म्हाका मात्र कवी कोंकणी आवयविशीं मागणें करचें झालकना. तुमकां तुमची आवय दोळयां मुखार फुड जाली तर नवाल ना. कोंकणी आवयचे गतिची ही वीधवावळी 'गुलामपणाची ताड' कवितेंत तो मुखारसिता, मागीर हें गुलामपण वरणिताना कविन जें मध्ध विंचल्यात, जे संसार रचल्यात तांची कितली थोख्णाय केल्ले तितली उणेंच. 'आशा', 'निर्भागी आवय' कवितेंनी कविचो कोंकणीचो हो हुस्को आनिकय मुकार चमकाल्लो दिसता.

मनीस जावन जलमोन मनशापण नातलेल्यांचीं वेवेगळीं मुखां वेवेगळे कवितेंनी उपयेंवचीं दिस्तात. 'हांव कितें करुं?' कविता तसल्या एका गुंध्याचेर रचल्या. मागीर असल्या मन्शापणाचीं खोव्ळां 'आयतार सोंत भागेवंतपणीं सांभाळ' कवितेंनी ज्योरान उकलायिल्लीं दिस्तात. तिल्लें पावनातल्याक 'वदलावण' कवितेंत कविचे चुर्चुरे काळजाच्या थळा थावन हाकवोव मारल्ले आयकातात. तो चंद्राक पावोन सुर्याक तिळता, काजु रुकांनी - आंव्यारुकांनी उडता, सुण्याच्या ताळयांक आनी रेड्यांचा उल्यांक पिळता. पुण कसलोय तफावत मेळनातल्ल्या ताका वदलल्लें मन्शाचें मन्शापण देख्ताना तो वात कडल्लेंवरी करराता.

घरची मोडकी आंगणाक उडवन पर्क्याचा कुंडल्यांत भांगार शिजंव्चें पिंतुर 'भिकारी' कवितेंत कविन वरणलां. 'खुरसाय ताका खुरसाय' कवितेत ह्या मन्शाकुळाचेर वीट येवन उचारल्ल्या भोगणांचो खत्कतो कसाप्याचेय काळिज कडंव्क पावतात. सभारकडे आपल्या रगाचें झरलाणें झरलांव्चो कवी आशावादीय व्हय. 'पर्कि गांव' कवितेच्यो सुरिवल्यो पंगि वाच्तानांच हें ताचें मन वेक्त जाता.

'निदे वाळा निदे' सगव कवितांच्यांकई वेगळयाच एका संसारक व्हर्न पावंची सोभिथ कविता. कवी कोणाक निदोंक सांग्ता हाची जाण्वाय जोडुन गेल्ल्यावरी कवितेची गोडसाण चाकोंक मेळता आनी कसायाची काल्स हातांत धरन दिल्ल्ये वोव्ळिगेची सार्थकता पाचारता.

'लेक टी म्हाका' कवितेन ह्या पुस्तकांत तरनाटपणाच्या मोगाच्ये कवितेचो अप्रूप जागो भरतो केला.

ಬರ್ಯಾಂತ್ಲೆಂ ಬರೆಂ ತೊ ಆರಾಂವ್ಕ್ ಸಕ್ಲಾ ಆನಿ ತಾಂಕಾಂ ಮೊಳುನ್ ಇಮಾಜಿಂಚೆಂ ರೂಪ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಸಕ್ಲಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸುಸ್ತತಾ.

ವಲ್ಲಿಚ್ಯಾ ಕವಿತೆಚ್ಯಾ ಪಾಂವ್ಡ್ಯಾಕ್ ಸಾಣ್ಯಾಕ್ ಧರ್ರ್ಬೆಂ ಕಾಮ್ ಹಾಂವ್ ಕರಿನಾ. ಬದ್ಲಾಕ್ ತಾಣೆ ರುತಾ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ವಾಟೆರ್ ಪಾಸಾಯೊ ಮಾರುಂಕ್ ಯೆತಲ್ಯಾ ಮೊಗಿಂಕ್ ಸುವಾಧಾಚಿಂ ಥೊಡಿಂ ವೊಳಿಂ ವಾಂಟ್ಚೆಂ ಪ್ರೇತನ್ ಕರ್ತಾಂ.

ಕವಿ ಕೊಂಕಣೆಚ್ಯಾ ಮೊಗಾನ್ ತೊವ್ಲಾ. ತೊ ತೊವುನ್ ಖಾಲಿ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಆದಿಂ ಖಂಯ್ ಥೊಡೆಕಡೆ ರಾಗಾನ್ ಆನಿ ಖಂಯ್ ಥೊಡೆಕಡೆ ಮೊಗಾನ್ ಧಾರಾಳ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಆಶೆತಾ. ತಾಚಿ ಕವಿತಾ 'ಏಕ್ ಮಾಗ್ಣೆಂ' ಭಾಯ್ಲಿ ದೆಕುಕ್ ಏಕ್ ದಿಸ್ತಾ ತರ್ ವಾಚುನ್ ಪಚಯ್ತಾನಾ ಏಕೆಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ಏಕೇಕ್ ಇಮಾಜ್ ಝುಳ್ಕಲಿ ತರ್ ನವಾಲ್ ನಾ. ಮ್ಹಕಾ ಮಾತ್ರ್ ಕವಿ ಕೊಂಕಣಿ ಆವಯ್‌ವಿಶಿಂ ಮಾಗ್ಣೆಂ ಕರ್ಚೆಂ ಝುಳ್ಕತಾ. ತುಮ್ಕಾಂ ತುಮ್ಚಿ ಆವಯ್ ದೊಳ್ಯಾಂ ಮುಖಾರ್ ಪುಡ್ ಜಾಂವ್ಕಯ್ ಪುರೊ. ಕೊಂಕಣಿ ಆವಯ್ಚಿ ಗತಿಚಿ ಹೆ ವೀದ್‌ವಾವ್ಳಿ 'ಗುಲಾಮ್‌ಪಣಾಚಿ ತಾಡ್' ಕವಿತೆಂತ್ ತೊ ಮುಖಾರ್ಸಿತಾ. ಮಾಗೀರ್ ಹೆಂ ಗುಲಾಮ್‌ಪಣ್ ವರ್ಣಿತಾನಾ ಕವಿನ್ ಜೆ ಸಬ್ದ್ ವಿಂಚ್ಲ್ಯಾತ್, ಜೆ ಸಂಸಾರ್ ರಚ್ಲ್ಯಾತ್ ತಾಂಚಿ ಕಿತ್ಲಿ ತೋಖ್ಣಾಯ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ತಿತ್ಲಿ ಉಣೆಂಚ್. 'ಆಶಾ 'ನಿರ್ಭಾಗಿ ಆವಯ್ ಕವಿತೆಂನಿ ಕವಿಚೊ ಕೊಂಕಣೆಚೊ ಹೊ ಹುಸ್ಕೊ ಆನಿಕ್‌ಯ್ ಮುಕಾರ್ ಚಮ್ಕಲ್ಲೊ ದಿಸ್ತಾ.

ಮನೀಸ್ ಜಾವ್ನ್ ಜಲ್ಮೊನ್ ಮನ್ಶ್ಯಾಪಣ್ ನಾತ್ಲಲ್ಯಾಂಚಿಂ ವೆವೆಗ್ಳಿಂ ಮುಖಾಂ ವೆವೆಗ್ಳ್ಯ ಕವಿತೆಂನಿ ಉಪ್ಸೆಂವ್ಚಿಂ ದಿಸ್ತಾತ್.' ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಕರುಂ? ಕವಿತಾ ತಸಲ್ಯಾ ಎಕಾ ಗುಂಡ್ಯಾಚೆರ್ ರಚ್ಲ್ಯಾ . ಮಾಗೀರ್ ಅಸಲ್ಯಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಪಣಾಚಿಂ ಖೊವ್ಳಾಂ 'ಆಯ್ತಾರ್ ಸೊಂಧ್ ಭಾಗೆವಂತ್‌ಪಣಿಂ ಸಾಂಬಾಳ್' ಕವಿತೆಂತ್ ಜ್ಯೊರಾನ್ ಉಕ್ಲಾಯಿಲ್ಲಿಂ ದಿಸ್ತಾತ್. ತಿತ್ಲೆಂ ಪಾವನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಕ್ 'ಬದ್ಲಾವಣ್' ಕವಿತೆಂತ್ ಕವಿಚೆ ಚುರ್ಚುರೆ ಕಾಳ್ಜಾಚ್ಯಾ ಥಳಾಥಾವ್ನ್ ಹಾಕ್‌ಬೊಬ್ ಮಾರ್‌ಲ್ಲೆ ಆಯ್ಕಾತಾತ್. ತೊ ಚಂದ್ರಾಕ್ ಪಾವೊನ್ ಸುರ್ಯಾಕ್ ತಿಳ್ತಾ. ಕಾಜು ರುಕಾಂನಿ ಆಂಬ್ಯಾರುಕಾಂನಿ ಉಡ್ತಾ, ಸುಣ್ಯಾಚ್ಯಾ ತಾಳ್ಯಾಂಕ್ ಆನಿ ರೆಡ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಉಲ್ಯಾಂಕ್ ಪಿಳ್ತಾ. ಪುಣ್ ಕಸಲೊಯ್ ತಫಾವತ್ ಮೆಳನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತಾಕಾ ಬದ್ಲಲ್ಲೆಂ ಮನ್ಶ್ಯಾಚೆಂ ಮನ್ಶ್ಯಾಪಣ್ ದೆಖ್ತಾನಾ ತೊ ವಾತ್ ಕಡ್‌ಲ್ಲೆಬರಿ ಕರ್ಗತಾ.

ಘುರ್ಬಿ ಮೊಡ್ಕಿ ಆಂಗ್ಣಾಕ್ ಉಡವ್ನ್ ಪರ್ಕ್ಯಾಚ್ಯಾ ಕುಂಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಶಿಜಂವ್ಚೆಂ ಪಿಂತುರ್ 'ಭಿಕಾರಿ' ಕವಿತೆಂತ್ ಕವಿನ್ ವರ್ಣಿಲಾಂ. 'ಖಿರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖಿರ್ಸಾಯ್' ಕವಿತೆಂತ್ ಹ್ಯಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಕುಳಾಚೆರ್ ವೀಟ್ ಯೇವ್ನ್ ಉಚಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಭೊಗ್ಣಾಂಚೊ ಖತ್ಕತೊ ಕಸಾಪ್ಪ್ಯಾಚೇಂಯ್ ಕಾಳೀಜ್ ಕಡಂವ್ಕ್ ಪಾವ್ತಾತ್. ಸಭಾರ್‌ಕಡೆ ಆಪ್ಲ್ಯಾ

काळजाभितर होगडाइल्या काळजांचें लेक विचारचो कवी वेगळाचारच्ये धुकिन वोळवळल्लो दिसता.

कवी वल्ली क्वाड्रसाक वाचताना जिण्येचीं कस्ताळां उस्तून दोळयां साम्कार दवरून ताच्या बरयावायटाचें माप जांकचें झळकाता. तशें जोकुन दिवचें तीरमान थोड्यांक दुकतेलें जांवक पुरो, थोड्यांक तोम्नेलें जांवक पुरो. थोडेपावटी कवीच ताणे वापरल्ल्या उत्रांनी, छंधस्सांनी, मात्रांनी या मीटरांनी चुकलाशें दिसता जांव्क पुरो. पुण ताणे पाटीं पळेनास्तां आपणाक भोगल्लें सांगच्यांत घेतल्लें धयर आनी सांगोंक वापरल्ले कवितेच्ये वाटेक आमी शाभास्की दिली थर फुडारांत कोंकणी कविताशेताक तो महत्वाची धेणगी दींवक सक्तलो म्हण्च्यांत कायिंच धुवाव ना.

मेल्विन रोड्रिगस

दुबाई

नवेंबर 14, 2002

भुरग्यांचो दीस

ರಾಗಾಚೆಂ ಝುಗ್ಲಾಣೆಂ ಕವಿ ಆಶಾವಾದೀಯ್ ವ್ಹಯ್. ಪರ್ಕಿ ಗಾಂವ್ ಕವಿತೆಚ್ಯೊ ಸುರ್ವಿಲ್ಯೊ ಪಂಗ್ತಿ ವಾಚ್ತಾನಾಂಚ್ ಹೆಂ ತಾಚೆಂ ಮನ್ ವೆಕ್ತ್ ಜಾತಾ.

'ನಿದೆ ಬಾಳಾ ನಿದೆ' ಸರ್ವ್ ಕವಿತಾಂಚ್ಯಾಕ್‌ಯ್ ವೆಗ್ಳ್ಯಾಚ್ ಎಕಾ ಸಂಸಾರಾಕ್ ವ್ಹರ್ನ್ ಪಾವಂವ್ಚಿ ಸೊಭಿತ್ ಕವಿತಾ. ಕವಿ ಕೊಣಾಕ್ ನಿದೊಂಕ್ ಸಾಂಗ್ತಾ ಹಾಚಿ ಜಾಣ್ವಾಯ್ ಜೊಡುನ್ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾಬರಿ ಕವಿತೆಚಿ ಗೊಡ್ಸಾಣ್ ಚಾಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾ ಆನಿ ಕಸಾಯಾಚಿ ಕಾಲ್ಸ್ ಹಾತಾಂತ್ ಧರ್ಸ್ ದಿಲ್ಲ್ಯೆ ವೊಪ್ಪಿಗೆಚಿ ಸಾರ್ಥಕತಾ ಪಾಚ್ಯಾರ್ತಾ.

'ಲೆಕ್ ದೀ ಮ್ಹಕಾ' ಕವಿತೆನ್ ಹ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಂತ್ ತರ್ನಾಟ್ಪಣಾಚ್ಯಾ ಮೊಗಾಚ್ಯೆ ಕವಿತೆಚೊ ಅಪ್ರೂಪ್ ಜಾಗೊ ಭರ್ತಿ ಕೆಲಾ. ಕಾಳ್ಜಾಭಿತರ್ ಹೊಗ್ಡಾಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಂಚೆಂ ಲೇಕ್ ವಿಚಾರ್ಶ್ಯೊ ಕವಿ ವೆಗ್ಳ್ಯಾಚಾರಾಚ್ಯೆ ದುಕಿನ್ ವೊಳ್ವಳ್‌ಲ್ಲೊ ದಿಸ್ತಾ.

ಕವಿ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾಕ್ ವಾಚ್ತಾನಾ ಜಿಣ್ಯೆಚಿಂ ಕಸ್ತಳಾಂ ಉಸ್ತುನ್ ದೊಳ್ಯಾಂ ಸಾಮ್ಕಾರ್ ದವರ್ಸ್ ತಾಚ್ಯಾ ಬರ್ಯಾವಾಯ್ಟಾಚೆಂ ಮಾಪ್ ಜೊಕ್ಚೆಂ ಝುಳ್ಕತಾ. ತಶೆಂ ಜೊಕುನ್ ದಿಂವ್ಚೆಂ ತೀರ್ಮಾನ್ ಥೊಡ್ಯಾಂಕ್ ದುಕ್ತೆಲೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ, ಥೊಡ್ಯಾಂಕ್ ತೊಪ್ತಲೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ. ಥೊಡೆಪಾವ್ಟಿಂ ಕವಿಚ್ ತಾಣೆ ವಾಪ್‌ರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿ, ಛಂಧಸ್ಸಾಂನಿ, ಮಾತ್ರಾಂನಿ ಯಾ ಮೀಟರಾಂನಿ ಚುಕ್ಲಾಶೆಂ ದಿಸ್ತಾ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ. ಪುಣ್ ತಾಣೆ ಪಾಟಿಂ ಪಳೆನಾಸ್ತಾಂ ಆಪ್ಣಾಕ್ ಭೊಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ಸಾಂಗ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಘೆತ್‌ಲ್ಲೆಂ ಧೈರ್ ಆನಿ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ವಾಪ್‌ರಲ್ಲೆ ಕವಿತೆಚ್ಯೆ ವಾಟೆಕ್ ಆನಿ ಶಾಭಾಸ್ಕಿ ದಿಲಿ ತರ್ ಫುಡಾರಾಂತ್ ಕೊಂಕಣಿ ಕವಿತಾಶೆತಾಕ್ ತೊ ಮಹತ್ವಾಚಿ ದೇಣ್ಗಿ ದೀಂವ್ಕ್ ಸಕ್ತಲೊ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಕಾಯಿಂಚ್ ಧುಭಾವ್ ನಾ.

ಮೆಲ್ವಿನ್ ರೊಡ್ರಿಗೆಸ್
ದುಬಾಯ್

1. आशा

मुकोन पडलल्यो खोलियो मयत
कुसोन गेल्यो
भाग जोतांक घोळचांक मयत
वाववन व्हेलो
मुखी दाड ही पोजडी नाड ही
म्हज्या मतिंत आशा मात
मागेन मोगेन जियेता
वोंटी म्हजीं मुकोन गेलीं
मिग्यो पडोन कातीं गेल्यां
मत मात सदां निह्याळता
म्हजीं वाळां पाटीं केन्ना येतित
उस्क्यार म्हज्या लोळळे
हांडियेर म्हजा खेळळे
चार मेटां चडल्लेच्च
वोल्त्या पाटल्यान पोळळे
गकोन गकोन पांय म्हजे वोळळे
म्हजे भुरगे खंय गेले
आशिय कित्याक ही आशा म्हाका
कोंवी सयत पाकाट्यां भितर
अपल्या पिलांक आगयता
मन्जात सयत पिलांक लेंव्ता
म्हजीं वाळां मात कित्याक
म्हजिच्च गोमटी लुंवतात?
म्हज्या गोपांत शिक्लेली भास
आज तांका परकी कित्याक?
मायेचो मोग तांचा काळजांत्लो
कोणा वायेन लुटला

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
308

1. ಆಶಾ

ಸುಕೊನ್ ಪಡ್ಲಲ್ಯೊ ಖೊಲಿಯೊ ಸಯ್ತ್
ಕುಸೊನ್ ಗೆಲ್ಯೊ
ಭಾರಾ ಜೊತಾಂಕ್ ಘೊಳ್ಟ್ಯಾಂಕ್ ಸಯ್ತ್
ವಾವವ್ನ್ ಪೆಲೊ
ಸುಖಿ ದಾಡ್ ಹಿ ಪ್ರೊಜ್ಟಿ ನಾಡ್ ಹಿ
ಮ್ಹಜಾ ಮತಿಂತ್ ಆಶಾ ಮಾತ್
ಮೊರೊನ್ ಮೊರೊನ್ ಜಿಯೆತಾ
ವೊಂಟಿ ಮ್ಹಜಿ ಸಕೊನ್ ಗೆಲಿ
ಮಿರಿಯೊ ಪಡೊನ್ ಕಾತಿ ಗೆಲ್ಯೊ
ಮತ್ ಮಾತ್ ಸದಾಂ ನಿಹಾಳ್ತಾ
ಮ್ಹಜಿಂ ಬಾಳಾಂ ಪಾಟಿಂ ಕೆನ್ನಾ ಯೆತಿತ್
ಉಸ್ಕ್ಯಾರ್ ಮ್ಹಜಾ ಲೊಳ್ಳೆ
ಹಾಂಡಿಯೆರ್ ಮ್ಹಜಾ ಖೆಳ್ಳೆ
ಚಾರ್ ಮೆಟಾಂ ಚಡ್‌ಲ್ಲೆಚ್ಚ್
ಬೊಲ್ತ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಪೊಳ್ಳೆ
ರಾಕೊನ್ ರಾಕೊನ್ ಪಾಂಯ್ ಮ್ಹಜೆ ವೊಳ್ಳೆ
ಮ್ಹಜೆ ಬುರ್ಗೆ ಖಿಂಯ್ ಗೆಲೆ
ಅಶಿಯ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಹಿ ಆಶಾ ಮ್ಹಕಾ
ಕೊಂಭಿ ಸಯ್ತ್ ಪಾಕಾಟ್ಯಾಂ ಭಿತರ್
ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಪಿಲಾಂಕ್ ಆರಾಯ್ತಾ
ಮನ್ಶ್ಯಾತ್ ಸಯ್ತ್ ಪಿಲಾಂಕ್ ಲೆಂವ್ತಾ
ಮ್ಹಜಿಂ ಬಾಳಾಂ ಮಾತ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್
ಮ್ಹಜಿಚ್ಚ್ ಗೊಮ್ಹಿ ಲುಂವ್ತಾತ್?
ಮ್ಹಜಾ ಗೊಪಾಂತ್ ಶಿಕ್ಲೆಲಿ ಭಾಸ್
ಆಜ್ ತಾಂಕಾಂ ಪರ್ಕಿ ಕಿತ್ಯಾಕ್?
ಮಾಯೆಚೊ ಮೋಗ್ ತಾಂಚಾ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ಲೊ
ಕೊಣಾ ಬಾಯೆನ್ ಲುಟ್ಲೊ

मोगेंक गेल्यां पुता आतां
नीस मीस नाका म्हाका
हांवें मोर्चा आधिंच्च
म्हाका जिवेंशिं मारिनाका.

ಮೊರೊಂಕ್ ಗೆಲ್ಯಾಂ ಪುತಾ ಆತಾಂ
ನೀಸ್ ಮೀಸ್ ನಾಕಾ ಮ್ಹ ಕಾ
ಹಾಂವೆಂ ಮೊರ್ಚಾ ಆಧಿಂಚ್ಚ್
ಮ್ಹ ಕಾ ಜಿವೆಶಿಂ ಮಾರಿನಾಕಾ

2. गुलाम पणाची ताड

खंय गेल्लो तो रातिचा मध्यानेर परजळचो चंद्र
पुनेरल्ल्या नक्तिरांचा व्होग मधें
कांळभाण पांगुर्लेल्या प्रितुमेची खोळ निस्रावन
जिवी आशा उटंवक आत्रेरचो तो मोळवारय

कितली वरी रात ती परकी मनशाक वेंगेत घेवुन
आपलेंच फुडार मोध्चा वाजारिचा स्वप्णापरी
कुरलाभितर भायली सोभाय देखोंक आतुरचा अंत्रगान रक्चा पिलावरी
कल्ल करुन चिंताप उटयिल्लो चंद्रेम

काळांकाक दुरसातलें खंय मेले? मोळवार वात वेशटी जळता
निभांगार खंय पोळळे नांव नास्तां
उत्रांनी आपली वडिवकाय दाखेंवचे तुंडुरय
रंवाणक लागलेली कोंवी मयत कुंकुडसो पापुडता

कितें ना हांगा कितें ना?
आयचो चंद्रेम फाल्यां ना
हिज्ड्यांचो हासो नाकात मेल्ल्यांचो कुल्कुलो नाकात
हाताक दिवुन हात मुखार चल्यां आतां.

म्हजी भास म्हणोन हर्धं पेटतेलीं
फिरग्यांचा गुलामपणाक दिंव्येर कित्याक रळळें?
मायकच्च वोरन गुंड्येक लोटचा हांका
मांय भासेचो भोग खंय थावुन खिरलात?

2. ಗುಲಾಮ್ ಪಣಾಚಿ ತಾಡ್

ಖಂಯ್ ಗೆಲ್ಲೊ ತೊ ರಾತಿಚಾ ಮಧ್ಯಾನೆರ್ ಪರ್ಜಳ್ಚೊ ಚಂದ್ರ್
ಪುನೆಗೆಲ್ಲ್ಯಾ ನಕ್ತಿರಾಂಚಾ ವ್ಹೊರಾ ಮಧೆಂ
ಕಾಂಳ್ಬಾಣ್ ಪಾಂಗುರ್ಲೆಲ್ಯಾ ಪ್ರಿತುಮೆಚಿ ಖೊಳ್ ನಿಸ್ರಾವ್ನ್
ಜಿವಿ ಆಶಾ ಉಟಂವ್ಕ್ ಅತ್ರೆಗ್ಚೊ ತೊ ಮೊಳ್ಬಾರಾಯ್

ಕಿತ್ಲಿ ಬರಿ ರಾಟ್ ತಿ, ಪರ್ಕಿ ಮನ್ಶ್ಯಾಕ್ ವೆಂಗೆಂತ್ ಘೆವುನ್
ಆಪ್ಲೆಂಚ್ ಫುಡಾರ್ ಸೊಧ್ಚಾ ಬಾಜಾರಿಚಾ ಸ್ವಪ್ನಾಪರಿಂ
ಕರ್ಣಾಭಿತರ್ ಭಾಯ್ಲಿ ಸೊಭಾಯ್ ದೆಖೊಂಕ್ ಆತುರ್ಚ್ಯಾ ಅತ್ರೆಗಾನ್ ರಾಕ್ಚಾ ಪಿಲಾಂಬರಿಂ
ಕಲ್ಲ್ ಕರ್ನ್ ಚಿಂತಾಪ್ ಉಟಯಿಲ್ಲೊ ಚಂದ್ರೆಮ್

ಕಾಳೊಕಾಕ್ ದುರ್ಸ್ತೆಲೆ ಖಂಯ್ ಮೆಲೆ? ಮೊಳ್ಬಾರ್ ವಾತ್ ಬೆಶ್ವಿ ಜಳ್ತಾ
ನಿಭಾಂಗಾರ್ ಖಂಯ್ ಪೊಳೆ ನಾಂವ್ ನಾಸ್ತಾಂ
ಉತ್ರಾಂನಿ ಆಪ್ಲಿ ವಡ್ವಿಕಾಯ್ ದಾಖಂವ್ಚೆಂ ತುಂಡುರಾಯ್
ರೊವಾಣೆಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಲಿ ಕೊಂಭಿ ಸಯ್ತ್ ಕುಂಕುಡ್ಸೊ ಪಾಪುಡ್ತಾ

ಕಿತೆಂ ನಾ ಹಾಂಗಾ ಕಿತೆಂ ನಾ?
ಆಯ್ಚೊ ಚಂದ್ರೆಮ್ ಘಾಲ್ಯಾಂ ನಾ
ಹಿಜ್ಚ್ಯಾಂಚೊ ಹಾಸೊ ನಾಕಾತ್ ಮೆಲ್ಲ್ಯಾಂಚೊ ಕುಲ್ಕುಲೊ ನಾಕಾತ್
ಹಾತಾಕ್ ದಿವುನ್ ಹಾತ್ ಮುಖಾರ್ ಚಲ್ಯಾಂ ಆತಾಂ

ಮ್ಹುಜಿ ಭಾಸ್ ಮ್ಹುಣೊನ್ ಹರ್ಧೆಂ ಪೆಟ್ಟೆಲಿಂ
ಫಿಂಗ್ರ್ಯಾಂಚಾ ಗುಲಾಮ್‌ಪಣಾಕ್ ದಿಂಬ್ಯೆರ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಗಳ್ಳೆಂ?
ಮಾಯೆಕಟ್ಚ್ ವೊರ್ನ್ ಗುಂಡ್ಯೆಕ್ ಲೊಟ್ಚ್ಯಾ ಹಾಂಕಾ
ಮಾಂಯ್ ಭಾಸೆಚೊ ಮೋಗ್ ಖಂಯ್ ಘಾವುನ್ ಖರ್ಲ್ತ್?

3. एक मागणें

लेख नातल्लीं माग्णीं आयकोंवचा देवा
म्हजें एक माग्णें आयकोन घे
बरें वायट तुज्या हातांत आस्तां
दी सगळयांक कुर्पे देणीं
जिवितांत कांटे किल्लेय आसों
फुलापरीं ते लेखुंक शिकय आज
म्हज्या जिण्येक साव्ळी नां तरी
वोता गरमेंत ती सोधुंक पाव
पिडा शिडा येतेच्च रावों
पेल्याक म्हज्या सुखान दवर
काल्सिंत म्हजा कोडु आसों
म्हज्या पेल्याक गोडसाणेन भर
वेल्सांनीं म्हज्या वुराक तरी
हेरांचा घरा मेतियांनीं सजय
म्हज्या पोटांत भुक उरों
भुकेवच्या पेल्यांक सदां थांभय
म्हजीं काळजां झाळवन आसों
पेल्यांचीं काळजां थंड दवर सदां
हेरांचा मायेक भांगार श्रांगार उरों
म्हजी मांय सदां जियेंव

3. ಏಕ್ ಮಾಗ್ಣೆಂ

ಲೇಖ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿಂ ಮಾಗ್ಣಿಂ ಆಯ್ಕೊಂವ್ಕಾ ದೆವಾ
ಮ್ಹಜೆಂ ಏಕ್ ಮಾಗ್ಣೆಂ ಆಯ್ಕೊನ್ ಘೆ
ಬರೆಂ ವಾಯ್ಟ್ ತುಜಾ ಹಾತಾಂತ್ ಆಸ್ತಾಂ
ದೀ ಸಗ್ಳ್ಯಾಂಕ್ ಕುರ್ಪೆ ದೆಣೆಂ
ಜಿವಿತಾಂತ್ ಕಾಂಟೆ ಕಿತ್ಲೆಯ್ ಆಸೊಂ
ಫುಲಾಪರಿಂ ತೆ ಲೆಖುಂಕ್ ಶಿಕಯ್ ಆಜ್
ಮ್ಹಜಾ ಜಿಣ್ಯೆಕ್ ಸಾವ್ಳಿ ನಾಂ ತರೀ
ವೊತಾ ಗರ್ಮೆಂತ್ ತಿ ಸೊಧುಂಕ್ ಪಾವ್
ಪಿಡಾ ಶಿಡಾ ಯೆತಚ್ಚ್ ರಾವೊಂ
ಪೆಲ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಜಾ ಸುಖಾನ್ ದವರ್
ಕಾಲ್ಜಿಂತ್ ಮ್ಹಜಾ ಕೊಡು ಆಸೊಂ
ಮ್ಹಜಾ ಪೆಲ್ಯಾಕ್ ಗೊಡ್ಸಾಣೆನ್ ಭರ್
ಬೊಲ್ಸಾಂನಿ ಮ್ಹಜಾ ಬುರಾಕ್ ತರೀ
ಹೆರಾಂಚಾ ಘರಾ ಮೊತಿಯಾನಿಂ ಸಜಯ್
ಮ್ಹಜಾ ಪೊಟಾಂತ್ ಭುಕ್ ಉರೊಂ
ಭುಕೆಂವ್ಚ್ ಪೆಲ್ಯಾಂಕ್ ಸದಾಂ ಥಾಂಭಯ್
ಮ್ಹಜಿಂ ಕಾಳ್ಜಾಂ ಝುಳವ್ನ್ ಆಸೊಂ
ಪೆಲ್ಯಾಂಚಿಂ ಕಾಳ್ಜಾಂ ಥಂಡ್ ದವರ್ ಸದಾಂ
ಹೆರಾಂಚಾ ಮಾಯೆಕ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಶ್ರಂಗಾರ್ ಉರೊಂ
ಮ್ಹಜಿ ಮಾಂಯ್ ಸದಾಂ ಜಿಯೆಂವ್

4. आयतार सोंत भागेवंतपणी सांभाळ

मुकें सकाळ वारें वादाळ
पिश्या भुमिक तान रगताळ
मोर्चीं मोर्गेदित
मेल्ल्यांक पुरुंदित
आमकां आसा आयतार सोंत
भागेवंत्पणीं सांभाळ

घरांत जेवण परमळ
शित पोळी रोसा तुपाळ
सेज सांभारिचं गेलीं खणिंत
आपली पेलयांची कित्याक फिकिर
हात्याचो एक आयतार
भागेवंत्पणीं सांभाळ

शेतां पडल्यांत पणगिल
जोतां पावल्यांत गुड्यार
मांय भास चपावल्या मोल्यांत
कोण जाणा खंयच्या मुल्यांत
आयला 'होलिडे' आयतार
भागेवंत्पणीं सांभाळ

जीव हांची खोरेज काडता
दुडवा पोटली पात्कां धुता
पाताक कितें सर्ग कितें
देव आप्ल्या वोल्सांत आस्तां
सन्वारा पाटल्यान आयतार सोंत
भागेवंतपणीं सांभाळ

4. ಅಯ್ತ್ಯಾರ್ ಸೋಂತ್ ಭಾಗೆವಂತ್‌ಪಣಿಂ ಸಾಂಭಾಳ್

ಸುಕೆಂ ಸಕಾಳ್ ವಾರೆಂ ವಾದಾಳ್
ಪಿಶ್ಯಾ ಭುಮಿಕ್ ತಾನ್ ರಗ್ತಾಳ್
ಮೊರ್‍ಶಿಂ ಮೊರೊಂದಿತ್
ಮೆಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಪುರುಂದಿತ್
ಅಮ್ಕಾಂ ಅಸಾ ಅಯ್ತ್ಯಾರ್ ಸೋಂತ್
ಭಾಗೆವಂತ್ಪಣಿಂ ಸಾಂಭಾಳ್

ಗರಾಂತ್ ಜಿವಣ್ ಪರ್‍ಮಳ್
ಶಿತ್ ಪೊಳಿ ರೊಸಾ ತುಪಾಳ್
ಸೆಜ್ ಸಾಂಭಾರ್‍ಶಿ ಗೆಲಿಂ ಖಣಿಂತ್
ಅಪ್ಲಿಂ ಪೆಲ್ಯಾಂಚಿ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಫಿಕಿರ್
ಹಾಪ್ತ್ಯಾಚೊ ಏಕ್ ಅಯ್ತ್ಯಾರ್
ಭಾಗೆವಂತ್ಪಣಿಂ ಸಾಂಭಾಳ್

ಶೆತಾಂ ಪಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಪಡಿಲ್
ಜೊತಾಂ ಪಾವ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಗುಡ್ಯಾರ್
ಮಾಂಯ್ ಭಾಸ್ ಪಾವ್ಲ್ಯಾ ಮೊಲ್ಯಾಂತ್
ಕೋಣ್ ಜಾಣಾ ಖಂಯ್ಚ್ಯಾ ಮುಲ್ಯಾಂತ್
ಆಯ್ಲ್ಯಾ ಹೋಲಿಡೆ ಅಯ್ತ್ಯಾರ್
ಭಾಗೆವಂತ್ಪಣಿಂ ಸಾಂಭಾಳ್

ಜೀಬ್ ಹಾಂಚಿ ಖೊರೊಚ್ ಕಾಡ್ತಾ
ದುಡ್ವಾ ಪೊಟ್ಲಿ ಪಾತ್ಕಾಂ ಘುತಾ
ಪಾತಾಕ್ ಕಿತೆಂ ಸರ್ಗ್ ಕಿತೆಂ
ದೇವ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ ಅಸ್ತಾಂ
ಸನ್ವಾರಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಅಯ್ತ್ಯಾರ್ ಸೋಂತ್
ಭಾಗೆವಂತ್‌ಪಣಿಂ ಸಾಂಭಾಳ್

कोण नितळ कोण उतळ
घडी हांगा सगळी विकाळ
कोण जेमेता कोण धामेता
कोण न्हेसोन आर्धेकुरें
आयचो दीस आयतार मोंत
भागेवंतपणीं सांभाळ

ಕೋಣ್ ನಿತಳ್ ಕೋಣ್ ಉತಳ್
ಫುಡಿ ಹಾಂಗಾ ಸಗ್ಳಿ ವಿಕಾಳ್
ಕೋಣ್ ಜೆಮೆತಾ ಕೋಣ್ ಘಾಮೆತಾ
ಕೋಣ್ ನೆಸೊನ್ ಆರ್ಧೆಂಕುರೆಂ
ಆಯ್ಚೊ ದೀಸ್ ಆಯ್ತಾರ್ ಸೋಂತ್
ಭಾಗೆವಂತ್‌ಪಣಿಂ ಸಾಂಭಾಳ್

5. तुंडुराय

हे पळे धयराधिक
मत नाल्लेल्यांक मुटिंत घेवन
मिशियां वोळायतेले
मेल्ल्या वागाक फातोर मार्न
हर्धें पेटतेले
हांगासर हें सदां घडता
भारवाल्ल्यांचा पाटिर अन्येक मूट
दुकोळ पडोन दर्योय मुक्ला
नंयो वांयो कितें गजाल
फंडांत चुकोन वाग पडला
फातोर ताका हांवेंय मारला

सांरचें कितें करचें कितें
जिवे आम्चांक कोण हुंरता
मेल्ल्या मांशिक भाग शेर दूध
पेले लुटतात लुटुंदित
आम्चांची चोरी म्हा पातक
पेले लुंवतात लुंवोंदित
आम्चे मात नीट चलोंदित
आम्ची वाट सदां वांक्डिच
सवाल मात कोणाचेंय नाका

गांवांत आर्मींच तुंडुराय
आमच्या तळेक कोणी नाका

5. ತುಂಡುರಾಯ್

ಹೆ ಪಳೆ ಧಯ್ರಾಧಿಕ್
ಮತ್ ನಾತ್ಲೆಲ್ಯಾಂಕ್ ಮುಟಿಂತ್ ಘೆವ್ನ್
ಮಿಶಿಯೊ ವೊಳಾಯ್ತಿಲೆ
ಮೆಲ್ಲ್ಯಾ ವಾಗಾಕ್ ಫಾತೊರ್ ಮಾರ್ನ್
ಹರ್ದೆಂ ಪೆಟ್ತೆಲೆ
ಹಾಂಗಾಸರ್ ಹೆಂ ಸದಾಂ ಘಡ್ತಾ
ಭಾಗ್ವಲ್ಲ್ಯಾಂಚಾ ಪಾಟಿರ್ ಅನ್ಯೇಕ್ ಮೂಟ್
ದುಕೊಳ್ ಪಡೊನ್ ದರ್ಯ್ಯೊಯ್ ಸುಕ್ಲಾ
ನಂಯೊ ಬಾಂಯೊ ಕಿತೆಂ ಗಜಾಲ್
ಫಂಡಾಂತ್ ಚುಕೊನ್ ವಾಗ್ ಪಡ್ಲಾ
ಫಾತೊರ್ ತಾಕಾ ಹಾಂವೆಂಯ್ ಮಾರ್ಲ್ಲಾ

ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ಕಿತೆಂ ಕರ್ಚೆಂ ಕಿತೆಂ
ಜಿವೆ ಆಸ್ಚ್ಯಾಂಕ್ ಕೋಣ್ ಹುಂಗ್ತಾ
ಮೆಲ್ಲ್ಯಾ ಮೊಶಿಕ್ ಭಾರಾ ಶೆರ್ ದೂದ್
ಪೆಲೆ ಲುಟ್ತಾತ್ ಲುಟುಂದಿ
ಆಮ್ಚ್ಯಾಂಚಿ ಚೊರಿ ಮಾಪಾತಕ್
ಪೆಲೆ ಲುಂವ್ತಾತ್ ಲುಂವೊಂದಿ
ಆಮ್ಚೆ ಮಾತ್ ನೀಟ್ ಚಲೊಂದಿ
ಅಮ್ಚಿ ವಾಟ್ ಸದಾಂ ವಾಂಕ್ಡಿಚ್
ಸವಾಲ್ ಮಾತ್ ಕೊಣಾಚೆಂಯ್ ನಾಕಾ

ಗಾಂವಾಂತ್ ಆಮಿಂಚ್ ತುಂಡುರಾಯ್
ಆಮ್ಚ್ಯಾ ತಳ್ಳೆಕ್ ಕೊಣೇ ನಾಕಾ

6. निर्भागी आवय

तवळ तवळ चिंतुन आसां
आस्तम्तेर केन्ना उदेत गय
माती धुळ गकोन आसा
केन्ना शेणायत कोण जाणा
दुधा थेंबे
आमाली जाल्यात
मांय-वाव गुड्यार चडल्यांत
वाळचा उदकांत
उजो गुस्ला
चलोन चलोन
वाट चुकल्या
पाटीं दख्ताना
भुग्गीं दिसानांत
पोळयांत थोडीं
वोळयांत थोडीं
घोळयांत थोडीं
मेल्यांत थोडीं
कोण फिंग्र्यासवें
कोण मायतानासवें
कोण रडोन
कोण गळो चिड्डुन
निदल्यात थोडे जेम नास्तां
पोळयात थोडे पांय नास्तां
मायेक आमच्या
वाट चुकल्या
दांत्या फातोर गळयाक वांधा
गोमटी चिर्डुन

6. ನಿಭ್ರಾಗಿ ಆವಯ್

ತವಳ್ ತವಳ್ ಚಿಂತುನ್ ಆಸಾಂ
ಆಸ್ತಮ್ತೆರ್ ಕೆನ್ನಾ ಉದೆತ್ ರಾಯ್
ಮಾತಿ ಧುಳ್ ರಾಕೊನ್ ಆಸಾ
ಕೆನ್ನಾ ಶೆಣಯ್ತ್ತ ಕೋಣ್ ಜಾಣಾ
ದುಧಾ ಥೆಂಭೆ
ಆಮಾಲಿ ಜಾಲ್ಯಾತ್
ಮಾಂಯ್ ಬಾಬ್ ಗುಡ್ಯಾರ್ ಚಡ್ಲ್ಯಾಂತ್
ವಾಳ್ಟಾ ಉದ್ಯಾಂತ್
ಉಜೊ ಗುಸ್ಲಾ
ಚಲೊನ್ ಚಲೊನ್
ವಾಟ್ ಚುಕ್ಲ್ಯಾ
ಪಾಟಿಂ ದೆಖ್ತಾನಾ
ಬುರ್ಗಿಂ ದಿಸಾನಾಂತ್
ಪೊಳ್ಳ್ಯಾಂತ್ ಥೊಡಿಂ
ವೊಳ್ಳ್ಯಾಂತ್ ಥೊಡಿಂ
ಫೊಳ್ಳ್ಯಾಂತ್ ಥೊಡಿಂ
ಮೆಲ್ಯಾಂತ್ ಥೊಡಿಂ
ಕೋಣ್ ಫಿಂಗ್ರ್ಯಾಸವೆಂ
ಕೋಣ್ ಸಯ್ತಾನಾಸವೆಂ
ಕೋಣ್ ರಡೊನ್
ಕೋಣ್ ಗಳೊ ಚಿಡ್ಡುನ್
ನಿದ್ಲ್ಯಾತ್ ಥೊಡೆ ಜೆಮ್ ನಾಸ್ತಾಂ
ಪೊಳ್ಳ್ಯಾತ್ ಥೊಡೆ ಪಾಂಯ್ ನಾಸ್ತಾಂ
ಮಾಯೆಕ್ ಆಮ್ಟಾ
ವಾಟ್ ಚುಕ್ಲ್ಯಾ
ದಾಂತ್ಯಾ ಫಾತೊರ್ ಗಳ್ಯಾಕ್ ಬಾಂಧಾ
ಗೊಮ್ಟಿ ಚಿರ್ದುನ್

लगाड काडा
आकाशा उभार मत्री म्हजी
उभारन धरी
हात म्हजे वोळळयारई
धांवोन वेतां
हारीं हारीं
सांगोंक एक
करूंक अन्येक
मांय तुजो पूत
जालो पळे भुन
ताळो तुजो
कानांक येनां
उत्रां तुजीं
गयरीं जाल्यांत
आचार तुजे
विसर्न गेल्यात
विचार तुजे
कर्पोन गेल्यात
एका थेंभ्या दुधान
जीव दिलाय आस्तां
निमाण्या घड्यो
एक थेंभो उदाक
दींवक म्हजान
जांवचेना
वंजार कर्नाका
गळो तुजो
काप्लेल्या शिवाय
वाट म्हाका
दुसरी ना

ಲಗಾಡ್ ಕಾಡಾ
ಆಕಾಸಾ ಉಭಾರ್ ಸತ್ರಿ ಮ್ಹಜಿ
ಉಭಾರ್ಸ್ ಧರಿ
ಹಾತ್ ಮ್ಹಜೆ ವೊಳ್ಳ್ಯಾರೀ
ಧಾಂವೊನ್ ವೆತಾಂ
ಹಾರಿಂ ಹಾರಿಂ
ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಏಕ್
ಕರುಂಕ್ ಅನ್ಯೇಕ್
ಮಾಂಯ್ ತುಜೊ ಪೂತ್
ಜಾಲೊ ಪಳೆ ಭುತ್
ತಾಳೊ ತುಜೊ
ಕಾನಾಂಕ್ ಯೇನಾಂ
ಉತ್ರಾಂ ತುಜಿಂ
ಗಯ್ರಿಂ ಜಾಲ್ಯಾಂತ್
ಆಚಾರ್ ತುಜೆ
ವಿಸರ್ನ್ ಗೆಲ್ಯಾತ್
ವಿಚಾರ್ ತುಜೆ
ಕರ್ಪೊನ್ ಗೆಲ್ಯಾತ್
ಏಕಾ ಥೆಂಭ್ಯಾ ದುಧಾಸ್
ಜೀವ್ ದಿಲೊಯ್ ಆಸ್ತಾಂ
ನಿಮಾಣ್ಯಾ ಘಡ್ಯೆ
ಏಕ್ ಥೆಂಬೊ ಉದಾಕ್
ದೀಂವ್ಕ್ ಮ್ಹಜಾನ್
ಜಾಂವ್ಚೆ ನಾ
ಬೆಜಾರ್ ಕರ್ನಾಕಾ
ಗಳೊ ತುಜೊ
ಕಾಪ್ಲೆಲ್ಯಾ ಶಿವಾಯ್
ವಾಟ್ ಮ್ಹಕಾ
ದುಸ್ರಿ ನಾ

7. पोकोळ

पुणवे रातिर
जळचा वातिर
तुंवें दिल्ली भास गो चेडवा
आमास आयिल्लिच्च
मेणापरीं
कर्गोन गेली

7. ಪೊಕೊಳ್

ಪುನ್ವೆ ರಾತಿರ್
ಜಳ್ಗಾ ವಾತಿರ್
ತುಂವೆಂ ದಿಲ್ಲಿ ಭಾಸ್‌ಗೊ ಚೆಡ್ವಾ
ಆಮಾಸ್ ಆಯಿಲ್ಲಿಚ್ಚ್
ಮೆಣಾಪರಿಂ
ಕರ್ಗೊನ್ ಗೆಲಿ.

8. फुलां

फुलांगो फुलां
दालियां भर फुलां
विंचुन विंचुन वेंताय
आवोलीं शिवतीं वोवळां

एक गोंडो पुरो एका शेंड्याक
इतलीं फुलां कित्याक सांग
आयचीं फुलां फाल्यां पावतातगो
मात्यो सारयामुळां

फुलांगो फुलां
झडां रुकामुळां
वागोन वागोन विंच्ताय
कांट्या मधलीं फुलां

कोणा शेंड्यार कोणा मात्यार
कोणा देवाचा पांया गळयार
जल्माकीं फुलां मोरनाकीं फुलां
काजारांतीं फुलां फंडांतीं फुलां

फुलां तर उरतीं तर
फळां जावन उदेतीं फाल्यां
कोणा हर्याक तोपुन कांटे
खुंटताय कोणाचीं फुलां

फुलांगो फुलां
पिस्डोन गेल्लीं फुलां
कोणा मस्तेन कोणा मर्जेन
वावोन गेल्लीं फुलां

ಫುಲಾಂ

ಲಾಂಗೊ ಫುಲಾಂ
ಲಿಯೊ ಭರ್ ಫುಲಾಂ
ಂಚುನ್ ವಿಂಚುನ್ ವೆತಾಯ್
ಬೊಲಿಂ ಶಿಂಪ್ತಿಂ ವೊಪ್ಯಾಂ

ಕ್ ಗೊಂಡೊ ಪುರೊ ಎಕಾ ಶೆಂಡ್ಯಾಕ್
ತ್ಲಿಂ ಫುಲಾಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಸಾಂಗ್
ಯ್ಜಿಂ ಫುಲಾಂ ಫಾಲ್ಯಾಂ ಪಾವ್ತಾತ್ಗೊ
ಹಾತ್ಯೆ ಸಾರ್ಯಾಮುಳಾಂ

ಫುಲಾಂಗೊ ಫುಲಾಂ
ಘುಡಾಂ ರುಕಾಮುಳಾಂ
ಾಗೊನ್ ಬಾಗೊನ್ ವಿಂಚ್ತಾಯ್
ಾಂಟ್ಯಾ ಮಧ್ಲಿಂ ಫುಲಾಂ

ಕೊಣಾ ಶೆಂಡ್ಯಾರ್ ಕೊಣಾ ಮಾತ್ಯಾರ್
ಕೊಣಾ ದೆವಾಚಾ ಪಾಂಯಾ ಗಳ್ಯಾರ್
ಪಲ್ಮಾಕೀ ಫುಲಾಂ ಮೊರ್ನಾಕೀ ಫುಲಾಂ
ಸಾಚಾರಾಂತೀ ಫುಲಾಂ ಫಂಡಾಂತೀ ಫುಲಾಂ

ಫುಲಾಂ ತರ್ ಉರ್ತಿಂ ತರ್
ಫಳಾಂ ಜಾವ್ನ್ ಉದೆತಿಂ ಫಾಲ್ಯಾಂ
ಕೊಣಾ ಹರ್ದ್ಯಾಕ್ ತೊಪುನ್ ಕಾಂಟೆ
ಖಿಂಚ್ತಾಯ್ ಕೊಣಾಚಿಂ ಫುಲಾಂ.

ಫುಲಾಂಗೊ ಫುಲಾಂ
ಪಿಸ್ಚೊನ್ ಗೆಲ್ಲಿಂ ಫುಲಾಂ
ಕೊಣಾ ಮಸ್ತೆನ್ ಕೊಣಾ ಮರ್ಜೆನ್
ಬಾವೊನ್ ಗೆಲ್ಲಿಂ ಫುಲಾಂ

फळाक झड झडाक फांटो
फांट्यार फुल फुलाक मात कांटो
फुलां हीं मात सदां फुलां
खुंटा नेंटो जांटो

ಫಳಾಕ್ ಝುಡ್ ಝುಡಾಕ್ ಘಾಂಟೊ
ಘಾಂಟ್ಯಾರ್ ಫುಲ್ ಫುಲಾಕ್ ಮಾತ್ ಕಾಂಟೊ
ಫುಲಾಂ ಹಿಂ ಮಾತ್ ಸದಾಂ ಫುಲಾಂ
ಖಿಂಟಾ ನೆಂಟೊ ಜಾಂಟೊ

9. हांव कितें करुं

वोता भगांत शेतां भाटांत
कशटी घाम गळंवचांक
दर्‍या गरभांत वादाळा मुटिंत
जिवित सोदतेल्यांक
हांव कितें करुं हांव कितें म्हणों?

अर्धे न्हेसाण अर्धे जेवाण
पिशी भुक लाग्लेल्यांक
पिडेन पडोन दुखिन भरोन
मर्णालागीं झुज्तेल्यांक
हांव कितें करुं? हांव कितें म्हणों?

कोलु उभोन वोणोर्दी लकोन
मर्णावाट गक्तेल्यांक
दुब्ळिकाय वेव्हेपण
नालिसाय माल्दिसांव भोग्तेल्यांक
हांव कितें करुं? हांव कितें म्हणों?

वस्तुर पेंज
विडार लज नाल्लेल्यांक
अन्याय अत्याचार
लूटमार भलत्कार
हांव कितें करुं? हांव कितें म्हणों?

एक काळिज नां तर
काळजांत विरमत नां तर
देख्वि दीश्ट नां तर

9. ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಕರುಂ

ವ್ರೊತಾ ಘರಾಂತ್ ಶೆತಾಂ ಘಾಟಾಂತ್
ಕಶ್ಟಿ ಘಾಮ್ ಗಳಂವ್ಚ್ಯಾಂಕ್
ದರ್‍ಯಾ ಗರ್ಬ್ಯಾಂತ್ ವಾದಾಳಾ ಮುಟಿಂತ್
ಜಿವಿತ್ ಸೊಡ್ತೆಲ್ಯಾಂಕ್
ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಕರುಂ? ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣೊಂ?

ಅಧೆಂ ನೆಸಾಣ್ ಅರ್ಧೆಂ ಜೆವಾಣ್
ಪಿಶಿ ಭುಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಲ್ಯಾಂಕ್
ಪಿಡೆಸ್ ಪಡೊನ್ ದುಖಿಸ್ ಭರೊನ್
ಮರ್ಣಾಲಾಗಿಂ ರ್ಝುಜ್ತೆಲ್ಯಾಂಕ್
ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಕರುಂ? ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣೊಂ?

ಕೊಲು ಉಭೊನ್ ವ್ರೊಣೊದಿ ಲಕೊನ್
ಮರ್ಣಾವಾಟ್ ರಾಕ್ತೆಲ್ಯಾಂಕ್
ದುಬ್ಳಿಕಾಯ್ ಜಿಬ್ಟೆಪಣ್
ನಾಲಿಸಾಯ್ ಮಾಲ್ಪಿಸಾಂವ್ ಭೊಗ್ತೆಲ್ಯಾಂಕ್
ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಕರುಂ? ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣೊಂ?

ವಸ್ತುರ್ ಪೇಜ್
ಬಿಡಾರ್ ಲಜ್ ನಾತ್ಲೆಲ್ಯಾಂಕ್
ಅನ್ಯಾಯ್ ಅತ್ಯಾಚಾರ್
ಲೂಟ್ ಮಾರ್ ಭಲತ್ಕಾರ್
ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಕರುಂ? ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣೊಂ?

ಪಿಕ್ ಕಾಳಿಜ್ ನಾಂ ತರ್
ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಬಿರ್ಮೃತ್ ನಾಂ ತರ್
ದೆಖ್ಚಿ ದೀಶ್ಟ್ ನಾಂ ತರ್

कुम्के हात नां तर
हांव किनें करुं? हांव किनें म्हणों?

दुग्सोणीं फिर्गोणीं
दिसाचें सुख नाल्लेल्यांक
मनिस जावन जल्मोनई
मन्शापण नाल्लेल्यांक
हांव किनें करुं? हांव किनें म्हणों?

ಕುಮ್ಕೆ ಹಾತ್ ನಾಂ ತರ್
ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಕರುಂ? ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹುಣೊಂ?

ದುರ್ಸ್ಪೊಣಿ ಫಿಂರ್ಗ್ಗೊಣಿ
ದಿಸಾಚೆಂ ಸುಖ್ ನಾತ್ಲೆಲ್ಯಾಂಕ್
ಮನಿಸ್ ಜಾವ್ನ್ ಜಲ್ಮೊನೀ
ಮನ್ಶ್ಯಾಪಣ್ ನಾತ್ಲೆಲ್ಯಾಂಕ್
ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಕರುಂ? ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹುಣೊಂ?

10. शिराप पडलेलीं

जिवां आग्नां
न्हवी वोकाल्ल हांव
कन्ना मजा
कन्ना मजा
हर्याग म्हजा पांय तांचे
वेंगान ताचे पांय
वोळळ वाव्ळे म्हज
कन्ना घासवन
कन्ना पुसवन
सगळें सोसुन
जियेवन आसां हांव

कन्ना तेंप्ल
कन्ना दीवळ
कितल्ली मजा संसागर्ची
कन्ना वाग
कन्ना विगग
कसल्ली इजा येस्कोंडार्ची
एक थेंबो उदाक जांव
एक मूट शित जांव
म्हज्या नशिवाक फुटवना
हांव मात्र जियेतां
झगेन झगेन

वोत जांव
सावळी जांव
दीस जांव रात जांव

10. ಶಿರಾಪ್ ಪಡ್ಲೆಲಿಂ

ಜಿವೊ ಆಸ್ತಾಂ
ನ್ಹವಿ ವೊಕಾಲ್ ಹಾಂವ್
ಕೆನ್ನಾ ಸಜಾ
ಕೆನ್ನಾ ಮಜಾ
ಹದ್ರ್ಯಾರ್ ಮ್ಹಜಾ ಪಾಂಯ್ ತಾಂಚೆ
ವೆಂಗೊನ್ ತಾಚೆ ಪಾಂಯ್
ವೊಳ್ಳೆ ಬಾವ್ಲೆ ಮ್ಹಜೆ
ಕೆನ್ನಾ ಘೂಸವ್ನ್
ಕೆನ್ನಾ ಪುಸವ್ನ್
ಸಗ್ಳೆಂ ಸೊಸುನ್
ಜಿಯೆವ್ನ್ ಆಸಾಂ ಹಾಂವ್

ಕೆನ್ನಾ ತೇಂಪ್ಲ್
ಕೆನ್ನಾ ದೀವ್ಳ್
ಕಿತ್ಲಿ ಮಜಾ ಸಂಸಾರಾಚಿ
ಕೆನ್ನಾ ಬಾರ್
ಕೆನ್ನಾ ಪಿರಾರ್
ಕಸ್ಲಿ ಇಜಾ ಯೆಮ್ಕೊಂಡಾಚಿ
ಏಕ್ ಥೆಂಬೊ ಉದಾಕ್ ಜಾಂವ್
ಏಕ್ ಮೂಟ್ ಶಿತ್ ಜಾಂವ್
ಮ್ಹಜಾ ನಶಿಬಾಕ್ ಪುಟ್ವನಾ
ಹಾಂವ್ ಮಾತ್ರ್ ಜಿಯೆತಾಂ
ಝುರೊನ್ ಝುರೊನ್

ವೋತ್ ಜಾಂವ್
ಸಾವ್ಳಿ ಜಾಂವ್
ದೀಸ್ ಜಾಂವ್ ರಾತ್ ಜಾಂವ್

तेंप्लांत मान
धग्तेर घन
सरव दितां तरी
खाकुस जांव नाणी जांव
कुज्नांत तरी संगीं हांव
केन्ना कंल्वेचेर
केन्ना आंग्णा वयर
नेणां म्हजें स्थान

हांचेंच्च हट
कोणा कोणाक खोट
पुणेगेल्लो दीस गी
य शनी लागल्ली आमास
म्हजें जिणे कोणाक जाय
कस्तळ केन्ना
सिंगार केन्ना
दीस मात सरवांक जाय
जिवित म्हळळें मरण भोगुनासां
तांका केन्ना घाण
हांव तांची व्हाण

ತೆಂಪ್ಲಾಂತ್ ಮಾನ್
ಧರ್ತೆಸ್ ಘುನ್
ಸರ್ಪ್ ದಿತಾಂ ತರೀ
ಖಾಕುಸ್ ಜಾಂವ್ ನಾಣೆ ಜಾಂವ್
ಕುಜ್ಲ್ಯಾಂತ್ ತರೀ ಸಂಗಿ ಹಾಂವ್
ಕೆನ್ನಾ ಕಂಲ್ಬೆಚೆರ್
ಕೆನ್ನಾ ಆಂಗ್ಣಾ ವಯ್ರ್
ನೆಣಾಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಸ್ಥಾನ್

ಹಾಂಚೆಂಚ್ಯ್ ಹಟ್
ಕೊಣಾ ಕೊಣಾಕ್ ಖೊಟ್
ಪುನೆಗೆಲ್ಲೊ ದೀಸ್‌ಗೀ
ಯಾ ಶನಿ ಲಾಗ್‌ಲ್ಲಿ ಆಮಾಸ್
ಮ್ಹಜೆಂ ಜಿಣೆ ಕೊಣಾಕ್ ಜಾಯ್.
ಕಸ್ತೆಳ್ ಕೆನ್ನಾ
ಸಿಂಗಾರ್ ಕೆನ್ನಾ
ದೀಸ್ ಮಾತ್ ಸರ್ಪ್ಯಾಂಕ್ ಜಾಯ್
ಜಿವಿತ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಮರಣ್ ಭೊಗುನಾಸಾಂ
ತಾಂಕಾ ಕೆನ್ನಾ ಘಾಣ್
ಹಾಂವ್ ತಾಂಚಿ ವ್ಹಾಣ್

11. बांयतलो माण्को

ए वाय्तल्या माण्क्या
तुजेस्तकीं कितें गुणगुण्ताय
कस्लो दांग्रां फेगयताय
खंयचें आगयताय
कितें नेगयताय
भायर मार उडी
पळे दर्याच्यो तडी

11. ಬಾಂಯ್ತ್ಲೊ ಮಾಣ್ಕೊ

ಏ ಬಾಯ್ತ್ಲ್ಯಾ ಮಾಣ್ಕ್ಯಾ
ತುಜೇಸ್ತಕಿಂ ಕಿತೆಂ ಗುಣ್ಗ್ಗಣ್ಾತಾಯ್
ಕಸ್ಲೊ ದಾಂಗ್ರೊ ಫೆರಾಯ್ತಾಯ್
ಖಂಯ್ಚಿಂ ಆರಾಯ್ತಾಯ್
ಕಿತೆಂ ನೆರಾಯ್ತಾಯ್
ಭಾಯ್ರ್ ಮಾರ್ ಉಡಿ
ಪಳೆ ದರ್ಯಾಚ್ಯೊ ತಡಿ.

12. भिकारी

ही कसली तान गाय कीं कसली तान
दर्याक सगळया
एकाच घोटांत घोटचे तसली
ही कसली तान गाय

ही कसली आशागाय मेळल्लें सगळें आगयतात
जोळगें हांचें भगना कित्याक
मोळवाक पळे निसण घाल्या
ही कसली आशागाय

हें कसलें पिशेंगाय
घर्चा मोड्डक आंगणांत उडवन
भायलीं कुंडलीं सजंवचें तसलें
हें कसलें पिशेंगाय

देवा तुवें पोट कित्याक दिलेंय
पोटगी तें या गुदांव
घाल्तात भरतात चेप्तात तरी
घड्येन खंय वेतागाय

पोटच्च जर नातल्लें तर
संसारी कितेंच्च आस्तेंना
ना सर्ग ना देव
आस्तिना तान ना भुक
या ना भिकारी

12. ಭಿಕಾರಿ

ಹಿ ಕಸ್ಲಿ ತಾನ್‌ಗಾಯ್ ಹಿ ಕಸ್ಲಿ ತಾನ್
ದರ್‍ಯಾಕ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾ
ಎಕಾಚ್ ಘೊಟಾಂತ್ ಘೊಟ್ಚೆ ತಸಲಿ
ಹಿ ಕಸ್ಲಿ ತಾನ್‌ಗಾಯ್

ಹಿ ಕಸ್ಲೆ ಆಶಾಗಾಯ್ ಮೆಳ್‌ಲ್ಲೆಂ ಸಗ್ಳೆಂ ಆರಾಯ್ತಾತ್
ಜೋಳ್ಗೆಂ ಹಾಂಚೆಂ ಭರಾನಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್
ಮೊಳ್ಬಾಕ್ ಪಳೆ ನಿಸಣ್ ಘಾಲ್ಯಾ
ಹಿ ಕಸ್ಲಿ ಆಶಾಗಾಯ್.

ಹೆಂ ಕಸ್ಲೆಂ ಪಿಶೆಂಗಾಯ್
ಘುರ್ಚ್ಯಾ ಮೊಡ್ಕೆಕ್ ಆಂಗ್ಣಾಂತ್ ಉಡವ್ನ್
ಭಾಯ್ಲಿಂ ಕುಂಡ್ಲಿಂ ಸಜಂವ್ಚೆಂ ತಸ್ಲೆಂ
ಹೆಂ ಕಸ್ಲೆಂ ಪಿಶೆಂಗಾಯ್

ದೆವಾ ತುವೆಂ ಪೋಟ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಲೆಂಯ್
ಪೋಟ್‌ಗಿ ತೆಂ ಯಾ ಗುದಾಂವ್
ಘಾಲ್ತಾತ್ ಭರ್ತಾತ್ ಚೆಪ್ತಾತ್ ತರೀ
ಘುಡ್ಯೆನ್ ಖಂಯ್ ವೆತಾಗಾಯ್

ಪೋಟ್‌ಚ್ಚ್ ಜರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ತರ್
ಸಂಸಾರಿಂ ಕಿತೆಂಚ್ಚ್ ಆಸ್ತೆಂನಾ
ನಾ ಸರ್ಗ್ ನಾ ದೇವ್
ಆಸ್ತಿನಾ ತಾನ್ ಭುಕ್
ಯಾ ನಾ ಭಿಕಾರಿ.

13. खुरसाय ताका खुरसाय

गोरवां गोठ्यांत उदेवन आयलो
चाळीस दीस उपाशीं रावलो
राना मोळयांत मागणें केल्ल्याक
खुरसाय ताका खुरसाय

आरसों हो मन्शापिलो
पात्कांनी बुडोन धात्कि जालो
पाळो दिवुन सायतानाचो ताळो
पुण ताका - खुरसाय ताका खुरसाय

कुडड्या दोळयांक दीश्ट दिल्ल्या
केप्प्या कानांक गूण केल्ल्या
पातकां सागिळं धुवन वेल्ल्याक
खुरसाय ताका खुरसाय

ध्वेशान भरेन वायट केलें
फरिक्पणाचे तानेंत रगात चिंवलें
मोगाक वरन आव्रांत लोटलें
पुण ताका खुरसाय ताका खुरसाय

एकामेका मोग करा म्हळया
दुस्मानांक भगसुंक सांगल्ल्या
आस्त विकुन पेल्यांक दी म्हळयांक
खुरसाय ताका खुरसाय

13. ಖುರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್.

ಗೊರ್ವಾಂ ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ಉದೆವ್ನ್ ಆಯ್ಲೊ
ಚಾಳೀಸ್ ದೀಸ್ ಉಪಾಶಿಂ ರಾವ್ಲೊ
ರಾನಾ ಮೊಳ್ಯಾಂತ್ ಮಾಗ್ಣಿಂ ಕೆಲ್ಯಾಕ್
ಖುರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್

ಅಸೊಂ ಹೊ ಮನ್ಶಾಪಿಲೊ
ಪಾತ್ಕಾಂನಿ ಬುಡೊನ್ ಘಾತ್ಕಿ ಜಾಲೊ
ಪಾಳೊ ದಿವುನ್ ಸಯ್ತಾನಾಚೊ ತಾಳೊ
ಪುಣ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್ - ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್

ಕುಡ್ಡ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ದೀಶ್ಟ್ ದಿಲ್ಯಾ
ಕೆಪ್ಪ್ಯಾ ಕಾನಾಂಕ್ ಗೂಣ್ ಕೆಲ್ಯಾ
ಪಾತ್ಕಾಂ ಸಗ್ಳಿಂ ಧುವ್ನ್ ವೆಲ್ಯಾಕ್
ಖುರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್

ಥ್ವೇಶಾನ್ ಭರೊನ್ ವಾಯ್ಟ್ ಕೆಲೆಂ
ಫಾರಿಕ್ಪಣಾಚೆ ತಾನೆಂತ್ ರಗಾತ್ ಚಿಂವ್ಲೆಂ
ಮೊಗಾಕ್ ವರ್ನ್ ಆವ್ರಾಂತ್ ಲೊಟ್ಲೆಂ
ಪುಣ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್ · ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್

ಎಕಾಮೆಕಾ ಮೋಗ್ ಕರಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾ
ದುಸ್ಮಾನಾಂಕ್ ಭಗ್ಸುಂಕ್ ಸಾಂಗ್ಲ್ಯಾ
ಆಸ್ತ್ ವಿಕುನ್ ಪೆಲ್ಯಾಂಕ್ ದೀ ಮ್ಹಳ್ಯಾಂಕ್
ಖುರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್

मना निर्तीक विकुन दिलें
आपल्या पेल्यांक लुटुन खेलें
देवाक मग्न आडांव घालें
पुण ताका खुग्माय ताका खुग्माय

वारें वादाळांत्लें गक ल्ल्याक
पिडं शिडेंत भलायकी दिल्ल्याक
आपल्या पातकांचो कांट्या मुकुट न्हेसल्ल्याक
खुग्माय ताका खुग्माय

पळे हो असकत मनिस
तीस नाणयांक विकल्लो जुदास
चांग नंय भागेवंत वागव्वास
पुण ताका खुग्माय ताका खुग्माय

उदाक आसल्लें वाइन केलें
दोन माससळयांनी हजारांक वाडलें
मग्णा पावल्ल्यांक जिवंत केल्ल्याक
खुग्माय ताका खुग्माय

अव्रेचा घड्ये आयतो जालाय
तुजीं पात्कां ताच्या खांद्यार
एदोळच्च अग्धो मेल्ल्या ताका
खुग्माय ताका खुग्माय

तो मागा दर्यो फाग्क्पण घेंवचोना
तो जाणवायेचो मुग्यो आपलीं पातकां मेजिसोना
तर आतां गक्नाय कोणाक
खुग्माय ताका खुग्माय

ಸತಾ ನಿತಿಕ್ ವಿಕುನ್ ದಿಲೆಂ
ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಪೆಲ್ಯಾಂಕ್ ಲುಟುನ್ ಖೆಲೆಂ
ದೆವಾಕ್ ಮಾರ್ನ್ ಅಡೊವ್ ಘಾಲೆಂ
ಪುಣ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್ - ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್

ವಾರೆಂ ವಾದಾಳಾಂತ್ಲೆಂ ರಾಕ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಕ್
ಪಿಡೆ ಶಿಡೆಂತ್ ಭಲಾಯ್ಕಿ ದಿಲ್ಲ್ಯಾಕ್
ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಪಾತ್ಕಾಂಚೊ ಕಾಂಟ್ಯಾ ಮುಕಟ್ ನೆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಕ್
ಖುರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್.

ಪಳೆ ಹೊ ಅಸ್ಕತ್ ಮನಿಸ್
ತೀಸ್ ನಾಣ್ಯಾಂಕ್ ವಿಕ್‌ಲ್ಲೊ ಜುದಾಸ್
ಚೋರ್ ನಂಯ್ ಭಾಗೆವಂತ್ ಬಾರಾಬ್ಬಾಸ್
ಪುಣ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್ - ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್

ಉದಾಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ವಾಯ್ನ್ ಕೆಲೆಂ
ದೋನ್ ಮಾಸ್ಳ್ಯಾಂನಿ ಹಜಾರಾಂಕ್ ವಾಡ್ಲೆಂ
ಮರಣ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಜಿವಂತ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾಕ್
ಖುರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್

ಅಖ್ರೇಚಾ ಘಡ್ಯೆ ಆಯ್ತೊ ಜಾಲಾಯ್
ತುಜಿಂ ಪಾತ್ಕಾಂ ತಾಚಾ ಖಾಂದ್ಯಾರ್
ಎದೊಳ್‌ಚ್ಚ್ ಅರ್ಧೊ ಮೆಲ್ಲ್ಯಾ ತಾಕಾ
ಖುರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್

ತೊ ಮೊಗಾ ದರ್ಯೊ ಫಾರಿಕ್ಸಣ್ ಘೆಂವ್ಕ್ಯಾನಾ
ತೊ ಜಾಣ್ವಾಯೆಚೊ ಸುರ್ಯೊ ಆಪ್ಲಿಂ ಪಾತ್ಕಾಂ ಮೆಜಿಸೊನಾ
ತರ್ ಆತಾಂ ರಾಕ್ತಾಯ್ ಕೊಣಾಕ್
ಖುರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್

14. लेक दी म्हाका

तुज्या मोगान पाशार केल्ल्या घडियांचें
लेख म्हाका नाकागो चेडवा
लेख दिताय तर
तुज्या गरान होगडावन घेतल्ल्या मोगाचें
लेख दी तूं म्हाका

तुजे पासत खर्चिल्ल्याचें
लेख म्हाका नाकागो चेडवा
लेख दिताय तर
तुजे यादिं खर्चिल्ल्या घडियांचें
लेख दी तूं म्हाका

तुजे खातिर मांडलेल्या म्हजांचें
लेख म्हाका नाकागो चेडवा
लेख दिताय तर
तुजे पासीत दुस्मान जाल्ल्यांचें
लेख दी तूं म्हाका

तुजा वेगळाचारचे दुखित
दोळयांनीं वाळल्ल्या दुखांचें
लेक म्हाका नाकागो चेडवा
काळजा भितर होगडायिल्ल्या
काळजाचें लेख दी तूं म्हाका

14. ಲೇಕ್ ದೀ ಮ್ಹುಕಾ

ತುಜಾ ಮೊಗಾನ್ ಪಾಶಾರ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಘಡಿಯಾಂಚೆಂ
ಲೇಖ್ ಮ್ಹುಕಾ ನಾಕಾಗೊ ಚೆಡ್ವಾ
ಲೇಖ್ ದಿತಾಯ್ ತರ್
ತುಜಾ ರಾಗಾನ್ ಹೊಗ್ಡಾವ್ನ್ ಘೆತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೆಂ
ಲೇಖ್ ದೀ ತುಂ ಮ್ಹುಕಾ

ತುಜೆ ಪಾಸತ್ ಖರ್ಚಿಲ್ಲ್ಯಾಚೆಂ
ಲೇಖ್ ಮ್ಹುಕಾ ನಾಕಾಗೊ ಚೆಡ್ವಾ
ಲೇಖ್ ದಿತಾಯ್ ತರ್
ತುಜೆ ಯಾದಿಂ ಖರ್ಚಿಲ್ಲ್ಯಾ ಘಡಿಯಾಂಚೆಂ
ಲೇಖ್ ದೀ ತುಂ ಮ್ಹುಕಾ.

ತುಜೆ ಖಾತಿರ್ ಸಾಂಡ್ಲೆಲ್ಯಾ ಮ್ಹುಜಾಂಚೆಂ
ಲೇಖ್ ಮ್ಹುಕಾ ನಾಕಾಗೊ ಚೆಡ್ವಾ
ಲೇಖ್ ದಿತಾಯ್ ತರ್
ತುಜೆ ಪಾಸತ್ ದುಸ್ಮಾನ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾಂಚೆಂ
ಲೇಖ್ ದೀ ತುಂ ಮ್ಹುಕಾ

ತುಜಾ ವೆಗ್ಳ್ಯಾಚಾರಾಚೆ ದುಖಿಂತ್
ದೊಳ್ಯಾಂನಿಂ ವಾಳ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ದುಖಾಂಚೆಂ
ಲೇಕ್ ಮ್ಹುಕಾ ನಾಕಾಗೊ ಚೆಡ್ವಾ
ಕಾಳ್ಜಾ ಬಿತರ್ ಹೊಗ್ಡಾಯಿಲ್ಲ್ಯಾ
ಕಾಳ್ಜಾಚೆಂ ಲೇಖ್ ದೀ ತುಂ ಮ್ಹುಕಾ

15. परकी गांव

एका वाटेचे सांगातिरे
एका पयणाचे वाटसुरी
सुरवात वेगळी तरी
शेवोट मात एकच्च रे

आम्ची एक मात जिणींरे
राग कित्याक मोसोर कित्याक
कोसळोन वेचीं घरां तीं
आप्लें म्हळें चिंताप कित्याक

चार दिसांची जिणिरे
हरें जिद किल्ले दीस
आपलें धर्म आपलें करम
सगळें घेवुन चल आतां.

हांगा मात आपलीं पेलीं
थंय कोण सत्री धरी
सेजारी पोटोरन लेगून
आपली भुती भांधुन वरी

पावस ना मोड आम्चोंना
आमास ना झगलाणे ना
मयलां पय्सिलो पर्की गांवरे
दिसता मात सगळो वरोरे

15. ಪರ್ಕಿ ಗಾಂವ್

ಎಕಾ ವಾಟೆಚೆ ಸಾಂಗಾತಿರೆ
ಎಕಾ ಪಯ್ಣಾಚೆ ವಾಟ್ಸುರಿ
ಸುರ್ವಾತ್ ವೆಗ್ಳಿ ತರೀ
ಶೆವೊಟ್ ಮಾತ್ ಎಕ್‌ಚ್ಯ್ ರೆ

ಆಸ್ಸಿ ಏಕ್ ಮಾತ್ ಜಿಣೆರೆ
ರಾಗ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮೊಸೊರ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್
ಕೊಸ್ಲೊನ್ ವೆಚಿಂ ಘರಾಂ ತಿಂ
ಆಪ್ಲೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್

ಚಾರ್ ದಿಸಾಂಚಿಂ ಜಿಣೆರೆ
ಹಗೆಂ ಜಿದ್ ಕಿತ್ಲೆ ದೀಸ್
ಆಪ್ಲೆಂ ಧರ್ಮ್ ಆಪ್ಲೆಂ ಕರ್ಮ್
ಸಗ್ಳೆಂ ಘೆವುನ್ ಚಲ್ ಆತಾಂ

ಹಾಂಗಾ ಮಾತ್ ಆಪ್ಲಿಂ ಪೆಲಿಂ
ಥಂಯ್ ಕೋಣ್ ಸತ್ರಿ ಧರಿ
ಸೆಜಾರಿ ಪೊದೊರ್ಸ್ ಲೆಗೂನ್
ಆಪ್ಲಿ ಭುತಿ ಭಾಂಧುನ್ ವರಿ

ಪಾವ್ಸ್ ನಾ ಮೋಡ್ ಆಸ್ಕೊನಾ
ಆಮಾಸ್ ನಾ ಝುಗ್ಸಾಣೆ ನಾ
ಮಯ್ಯಾಂ ಪಯ್ಸಿಲೊ ಪರ್ಕಿ ಗಾಂವ್‌ರೆ
ದಿಸ್ತಾ ಮಾತ್ ಸಗ್ಳೊ ಬರೊರೆ.

16. रुदान

हें हिंव
मुटचें नंय
हें भ्यें
धांवचें नंय
ही खोरेज
वेची नंय

तो पातकी
हो घातकी
ताणे चोर्लां
हाणे फार्लां
हांव कोण
कोणी नेणा

देव कोण
देवचार कोण
मगर म्हजा
काळजा भितर
काळीज मात्र
मायार जालां.

हास्ता कोण
दुक्ता कोणाक
उलयता कोण
आयकात कोण
जिणीं मांतांची
कर्नी देवचाराची

16. ರುದಾನ್

ಹೆಂ ಹಿಂವ್
ಸುಟ್ಚೆಂ ನ್ಹೈಂ
ಹೆಂ ಭ್ಹೈಂ
ದಾಂವ್ಚೆಂ ನ್ಹೈಂ
ಹಿ ಖೊರೊಜ್
ವೆಚಿ ನ್ಹೈಂ

ತೊ ಪಾತ್ಕಿ
ಹೊ ಫಾತ್ಕಿ
ತಾಣೆ ಚೊರ್ಲಾಂ
ಹಾಣೆ ಫಾರ್ಲಾಂ
ಹಾಂವ್ ಕೋಣ್
ಕೊಣೀ ನೆಣಾ

ದೇವ್ ಕೋಣ್
ದೆಂವ್ಚಾರ್ ಕೋಣ್
ಸರ್ಪ್ ಮ್ಹಜಾ
ಕಾಳ್ಜಾ ಭಿತರ್
ಕಾಳೀಜ್ ಮಾತ್ರ್
ಮಾಯಾಗ್ ಜಾಲಾಂ

ಹಾಸ್ತಾ ಕೋಣ್
ದುಕ್ತಾ ಕೊಣಾಕ್
ಉಲಯ್ತಾ ಕೋಣ್
ಆಯ್ಕಾತ್ ಕೋಣ್
ಜಿಣೆಂ ಸಾಂತಾಂಚಿ
ಕರ್ನಿ ದೆಂವ್ಚಾರಾಚಿ

अपुण व्हड
तर पेले ल्हान
हांव श्रेष्ट
हेर ब्रश्ट
किसर म्हजें
आडें हेरांचें

दोंग्रा वयर
झर उदेल्या
अगसाक कोणेंगी
बुराक केला
लागीं अयिल्ले तितली
घाण चड

खुरिस कोणाक
आनी सर्ग कोणाक
सांगता कितें
आनी कर्ता कितें
हेंय एक जिवित
तर मरण म्हळयार कितें?

ಆಪುಣ್ ವ್ಹಡ್
ತರ್ ಪೆಲೆ ಲ್ಹಾನ್
ಹಾಂವ್ ಶ್ರೇಷ್ಟ್
ಹೆರ್ ಬ್ರಿಶ್ಟ್
ಕಿಸರ್ ಮ್ಹುಜೆಂ
ಆಡೆಂ ಹೆರಾಂಚೆಂ

ದೊಗ್ರಾ ವಯ್ರ್
ಝುರ್ ಉದೆಲ್ಯಾ
ಅಗಸಾಕ್ ಕೊಣೆಂಗೀ
ಬುರಾಕ್ ಕೆಲಾ
ಲಾಗ್ಗಿಂ ಆಯಿಲ್ಲೆ ತಿತ್ಲಿ
ಫಾಣ್ ಚಡ್

ಖುರಿಸ್ ಕೊಣಾಕ್
ಆನಿ ಸರ್ಗ್ ಕೊಣಾಕ್
ಸಾಂಗ್ತಾ ಕಿತೆಂ
ಆನಿ ಕರ್ತಾ ಕಿತೆಂ
ಹೆಂಯ್ ಏಕ್ ಜಿವಿತ್
ತರ್ ಮರಣ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ

17. तफावत

दिताना 'चार'
घेताना 'दोन'
पळे
मनिस कितलो दाधोशी
दिताना 'बोटां'
घेताना 'हात'
पळे
मनीस कितलो पडपशी

17. ತಫಾವತ್

ದಿತಾನಾ 'ಚಾರ್'

ಘೆತಾನಾ 'ದೋನ್'

ಪಳೆ

ಮನಿಸ್ ಕಿತ್ಲೊ ದಾಧೊಶಿ

ದಿತಾನಾ 'ಬೊಟಾಂ'

ಘೆತಾನಾ 'ಹಾತ್'

ಪಳೆ

ಮನಿಸ್ ಕಿತ್ಲೊ ಪಡ್ಪಶಿ

18. आमची भास महान

आमची जात महान
आमची कात महान
आमचो लोक नहान
आमची भास महान

कातरलें कुडायलें
दाडायलें खोटायलें
चिड्डिलें गुड्डिलें
वुड्डिलें मुड्डिलें
ऊट आनी सांग
आमची भास महान
आमची मांय महान

झारले हारले
जिरले गळळे
कोसाळळे फासाळळे
उसाळळे निसरले सगळे
ऊट आनी गा
आमची भास महान
आमची मांय महान

जिवो आसतां फुलां फळां
केन्ना फातोर काजरया फळां
मोरोन गेलेंच्य फुलांच फुलां
फळांच फळां
वा कसलो दर्वार
आमचो लोक महान
आमची जात महान

18. ಆಮ್ಚಿ ಭಾಸ್ ಮಹಾನ್

ಆಮ್ಚಿ ಜಾತ್ ಮಹಾನ್
ಆಮ್ಚಿ ಕಾತ್ ಮಹಾನ್
ಆಮ್ಚೊ ಲೋಕ್ ಮಹಾನ್
ಆಮ್ಚಿ ಭಾಸ್ ಮಹಾನ್

ಕಾತರ್ಲೆಂ ಕುಡಾಯ್ಲೆಂ
ದಾಡಾಯ್ಲೆಂ ಖೊಟಾಯ್ಲೆಂ
ಚಿಡ್ಡಿಲೆಂ ಗುಡ್ಡಿಲೆಂ
ಬುಡ್ಡಿಲೆಂ ಮುಡ್ಡಿಲೆಂ
ಊಟ್ ಆನಿ ಸಾಂಗ್
ಆಮ್ಚಿ ಭಾಸ್ ಮಹಾನ್
ಆಮ್ಚಿ ಮಾಂಯ್ ಮಹಾನ್

ಝುರ್ಲೆ ಹಾರ್ಲೆ
ಜಿರ್ಲೆ ಗಳ್ಳೆ
ಕೊಸಾಳ್ಳೆ ಘಾಸಾಳ್ಳೆ
ಉಸಾಳ್ಳೆ ನಿಸರ್ಲೆ ಸಗ್ಳೆ
ಊಟ್ ಆನಿ ಗಾ
ಆಮ್ಚಿ ಭಾಸ್ ಮಹಾನ್
ಆಮ್ಚಿ ಮಾಂಯ್ ಮಹಾನ್

ಜಿವೊ ಆಸ್ತಾಂ ಫುಲಾಂ ಫಳಾಂ
ಕೆನ್ನಾ ಘಾತೊರ್ ಕಾಜ್ರ್ಯಾ ಫಳಾಂ
ಮೊರೊನ್ ಗೆಲೆಂಚ್ಯಾ ಫುಲಾಂಚ್ ಫುಲಾಂ
ಫಳಾಂಚ್ ಫಳಾಂ
ವಾ ಕಸ್ಲೊ ದರ್ಬಾರ್
ಆಮ್ಚೊ ಲೋಕ್ ಮಹಾನ್
ಆಮ್ಚಿ ಜಾತ್ ಮಹಾನ್

कोणा घरीं नळे
कोणा काळजाक भालें
कोण घामेले कोण जेमेले
कोणाक फुलांझेले
कोण हर्शाक खिळे
मोड हे वळवळे
कितयाक हे कळवळे
महजेसंगीं मेळय ताळे
आमची कात महान
आमची भास महान

घोळटा तो घोळोंदी
लोळता तो लोळोंदी
झगता तो झगोंदी
मोग्ता तो मोगेंदी
आमचीं वाट आमकां
सावळीं फुलांनी भरोंदी
गायन आमचें मुखारुंदी
आमचो लोक महान
आमची जात महान
आमची कात महान
आमची भास महान

ಕೊಣಾಂ ಘರಿಂ ನಳೆ
ಕೊಣಾ ಕಾಳ್ಜಾಕ್ ಭಾಲೆ
ಕೋಣ್ ಘಾಮೆಲೆ ಕೋಣ್ ಜೆಮೆಲೆ
ಕೋಣಾಕ್ ಫುಲಾಂರ್ಝುಲೆ
ಕೊಣಾ ಹರ್ದ್ಯಾಕ್ ಖಿಳೆ
ಸೊಡ್ ಹೆ ವಳ್ವಳೆ
ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಹೆ ಕಳ್ವಳೆ
ಮ್ಹಜೆಸಂಗಿ ಮೆಳಯ್ ತಾಳೆ
ಅಮ್ಚಿ ಕಾತ್ ಮಹಾನ್
ಅಮ್ಚಿ ಭಾಸ್ ಮಹಾನ್
ಘೊಳ್ಳಾ ತೊ ಘೊಳೊಂದಿ

ಲೊಳ್ತಾ ತೊ ಲೊಳೊಂದಿ
ಝುರ್ತಾ ತೊ ಝುರೊಂದಿ
ಮೊರ್ತಾ ತೊ ಮೊರೊಂದಿ
ಅಮ್ಚಿ ವಾಟ್ ಅಮ್ಕಾಂ
ಸಾವ್ಲಿ ಫುಲಾಂನಿ ಭರೊಂದಿ
ಗಾಯನ್ ಅಮ್ಚೆಂ ಮುಖಾರುಂದಿ
ಅಮ್ಚೊ ಲೋಕ್ ಮಹಾನ್
ಅಮ್ಚಿ ಜಾತ್ ಮಹಾನ್
ಅಮ್ಚಿ ಕಾತ್ ಮಹಾನ್
ಅಮ್ಚಿ ಭಾಸ್ ಮಹಾನ್

चोरलें फारलें
लुटलें वावयलें फिंरिगन
मत पिशी आवळे अशी
आमचें म्हळळें कितें उरलें
गायतेल्यांक ताळो मेळय
गायन करुन ताळे वोळय
आमची मांय महान
मांय भास महान

ಚೊರ್ಲ್ಲೆಂ ಫಾರ್ಲ್ಲೆಂ
ಲುಟ್ಲೆಂ ವಾವಯ್ಲೆಂ ಫಿಂರ್ಗಿನ್
ಮತ್ ಪಿಶಿ ಆಬೈ ಅಶಿ
ಆಮ್ಚೆಂ ಮ್ಹುಳ್ಳೆಂ ಕಿತೆಂ ಉರ್ಲ್ಲೆಂ
ಗಾಯ್ತಿಲ್ಯಾಂಕ್ ತಾಳೊ ಮೆಳಯ್
ಗಾಯನ್ ಕರುನ್ ತಾಳೆ ವ್ಹೊಳಯ್
ಆಮ್ಚಿ ಮಾಂಯ್ ಮಹಾನ್
ಮಾಂಯ್ ಭಾಸ್ ಮಹಾನ್

19. बदलावण

चंद्राक पावोन सुरयाक तिळळें
तफावत कळळोना
धरतेक देंवोन रूक झडांक चोयलें
फरक मेळळोना
सर्ग-संसार रचलेल्या देवा सांग तूं म्हाका
मनिस कसो वदल्लो, मनिस कसो वदल्लो

धर्ते मातेर सुरया किरणां
आधीं थावुन अजून परयां
रुका झडांनी तिंच्च फळां
पयलें थावुन आज वरेग
काजू रुकांनी आंवे न्हय
आंव्या रुकांनी लिंवे न्हय
मन्शालागीं कित्याक ना मन्शापण
सांग देवा सांग मनिस कसो वदल्लो

रुका मुळां तेच्च साव्ळेंत
सुकर्णी रिगतात पाना खोवळेंत
पेटो धोंकिना पाड्या ताळो
पाडो हांवेना रेड्या उलो
मनिस कितयाक इत्लो वदल्लो
सांग देवा सांग मनिस कसो वदल्लो

सायवा रचणारा सांग तूं म्हाका
आवय्चा गर्भांत्लो आयिल्लो
रडोन पडोन व्हड जाल्लो मनिस
कसो जालो विन लादेन या सद्दाम

19. ಬದ್ಲಾವಣ್

ಚಂದ್ರಾಕ್ ಪಾವೊನ್ ಸುರ್ಯಾಕ್ ತಿಳ್ಳೆಂ
ತಫಾವತ್ ಕಳ್ಳೊನಾ
ಧರ್ತೆಕ್ ದೆಂವೊನ್ ರೂಕ್ ಝುಡಾಂಕ್ ಚೊಯ್ಲೆಂ
ಫರಕ್ ಮೆಳ್ಳೊನಾ
ಸರ್ಗ್ ಸಂಸಾರ್ ರಚ್ಲೆಲ್ಯಾ ದೆವಾ ಸಾಂಗ್ ತುಂ ಮ್ಹಕಾ
ಮನಿಸ್ ಕಸೊ ಬದಲ್ಲೊ, ಮನಿಸ್ ಕಸೊ ಬದಲ್ಲೊ

ಧರ್ತೆ ಮಾತೆರ್ ಸುರ್ಯಾ ಕಿರ್ಣಾಂ
ಆಧಿಂ ಥಾವುನ್ ಅಜೂನ್ ಪರ್ಯಾಂ
ರುಕಾ ಝುಡಾಂನಿ ತಿಂಚ್ಯಾ ಫಳಾಂ
ಪಯ್ಲೆಂ ಥಾವುನ್ ಆಜ್ ವರೇಗ್
ಕಾಜು ರುಕಾಂನಿ ಆಂಬೆ ನ್ಹಯ್
ಆಂಬ್ಯಾ ಉಕಾಂನಿ ಲಿಂಬೆ ನ್ಹಯ್
ಮನ್ಯಾಲಾಗಿಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ನಾ ಮನ್ಯಾಪಣ್
ಸಾಂಗ್ ದೆವಾ ಸಾಂಗ್ ಮನಿಸ್ ಕಸೊ ಬದಲ್ಲೊ

ರುಕಾ ಮುಳಾಂ ತೆಚ್ಯಾ ಸಾವ್ಳೆಂತ್
ಸುಕ್ಣಿಂ ರಿಗ್ತಾತ್ ಪಾನಾ ಖೊವ್ಳೆಂತ್
ಪೆಟೊ ಘೊಂಕಿನಾ ಪಾಡ್ಯಾ ತಾಳೊ
ಪಾಡೊ ಹಾಂಬೆನಾ ರೆಡ್ಯಾ ಉಲೊ
ಮನಿಸ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಇತ್ಲೊ ಬದಲ್ಲೊ
ಸಾಂಗ್ ದೆವಾ ಸಾಂಗ್ ಮನಿಸ್ ಕಸೊ ಬದಲ್ಲೊ.

ಸಾಯ್ಬಾ ರಚ್ಣಾರಾ ಸಾಂಗ್ ತುಂ ಮ್ಹಕಾ
ಆವಯ್ಚ್ಯಾ ಗರ್ಭಾಂತ್ಲೊ ಆಯಿಲ್ಲೊ
ರಡೊನ್ ಪಡೊನ್ ವ್ಹಡ್ ಜಾಲ್ಲೊ ಮನಿಸ್
ಕಸೊ ಜಾಲೊ ಬಿನ್ ಲಾದೆನ್ ಯಾ ಸದ್ದಾಮ್

चिंतून चिंतून करगतां देवा
आतां पुणीं सांग मनिस कसो बदल्लो
पोसल्या देवा मनशाक सुधाय
या म्हाकाय दी बदलावण

ಚಿಂತುನ್ ಚಿಂತುನ್ ಕರ್ಗತಾಂ ದೆವಾ
ಆತಾಂ ಪುಣೇಂ ಸಾಂಗ್ ಮನಿಸ್ ಕಸೊ ಬದಲ್ಲೊ
ಪೊಸ್‌ಲ್ಯಾ ದೆವಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಕ್ ಸುಧ್ರಾಯ್
ಯಾ ಮ್ಹಕಾಯ್ ದೀ ಬದ್ಲಾವಣ್

20. येम्कुळो

म्हज्या देवा म्हज्या मायवा
म्हजे दोळे कुडड्यांक दिले
म्हजे कान केप्प्यांक दिले
म्हजे पांय थोंट्यांक दिले
काळिज नातलेल्यांक आतां
काळिज खंयचें दींव?

20. ಯೆಮ್ಮುಕಳೊ

ಮ್ಹುಜಾ ದೆವಾ ಮ್ಹುಜಾ ಸಾಯ್ಬಾ
ಮ್ಹುಜೆ ದೊಳೆ ಕುಡ್ಡ್ಯಾಂಕ್ ದಿಲೆ
ಮ್ಹುಜೆ ಕಾನ್ ಕೆಪ್ಯಾಂಕ್ ದಿಲೆ
ಮ್ಹುಜೆ ಪಾಂಯ್ ಥೊಂಟ್ಯಾಂಕ್ ದಿಲೆ
ಕಾಳಿಜ್ ನಾತ್ಲೆಲ್ಯಾಂಕ್ ಆತಾಂ
ಕಾಳಿಜ್ ಖಂಯ್ಚೆಂ ದೀಂವ್

21. निदे बाळा निदे

निदे बाळा तूं निदे
फांतें आजून आयतें जांवक ना
सुरयो बुडोंक तयार जालयारी
सकाळ अजून येंव्क ना

साद घालुन ताळो पडला कोंब्याक
आदान पियेल्ल्यो गायो चरोवाक चडल्यात गुड्याक
फांत्याचो दोव एदोळच्च सुरया किरणान लुटला
तूं निदे बाळा सकाळ अजून येंवक ना.

जागीं सगळीं घोरेतात
तोंडांत दव्रुन बोत्ल्यांक
गळयार तांचा वडलो खुरिस
म्हाका दितात सदां खरस

पावस वोत्लो आवर आयलें
नीद तांची सुटिलना
जगलाणीं मार्ली घडघडो पडलो
दोळयांक मात दिसत ना

आमचो वोंयो तुटोन पडल्यात
खुरिस मोडुन खांबे केल्यात
आमचे गादे पडिल पडल्यात
पेल्यांचो गायो चरोंक आयल्यात

आमची नीद आमका उरों
वोरां भारा सरोन तेरा जालीं
उटोन तरी कितें करी
निदे बाळा तूं निदे

21. ನಿದೆ ಬಾಳಾ ನಿದೆ

ನಿದೆ ಬಾಳಾ ತುಂ ನಿದೆ
ಫಾಂತೆಂ ಅಜೂನ್ ಆಯ್ತೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್‌ನಾ
ಸುರ್‍ಯೊ ಬುಡೊಂಕ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲ್ಯಾರೀ
ಸಕಾಳ್ ಆಜೂನ್ ಯೇಂವ್ಕ್ ನಾ

ಸಾದ್ ಫಾಲುನ್ ತಾಳೊ ಪಡ್ಲಾ ಕೊಂಬ್ಯಾಕ್
ಆದಾನ್ ಪಿಯೆಲ್ಲ್ಯಾ ಗಾಯೊ ಚರೊವಾಕ್ ಚಡ್ಲ್ಯಾತ್ ಗುಡ್ಯಾಕ್
ಫಾಂತ್ಯಾಚೊ ದೋವ್ ಎದೊಳ್‌ಚ್ಚ್ ಕಿರ್ನಾನ್ ಲುಟ್ಲಾ
ತು ನಿದೆ ಬಾಳಾ ಸಕಾಳ್ ಅಜೂನ್ ಯೇಂವ್ಕ್ ನಾ

ಜಾಗಿಂ ಸಗ್ಳಿಂ ಘೊರೆತಾತ್
ತೊಂಡಾಂತ್ ದವ್ರುನ್ ಬೊತ್ಲ್ಯಾಂಕ್
ಗಳ್ಯಾರ್ ತಾಂಚಾ ವಡ್ಲೊ ಖುರಿಸ್
ಮ್ಹುಕಾ ದಿತಾತ್ ಸದಾಂ ಖರಸ್

ಪಾವ್ಸ್ ವೊತ್ಲೊ ಆವ್ರ್ ಆಯ್ಲೆಂ
ನೀದ್ ತಾಂಚಿ ಸುಟ್ಲಿ ನಾ
ಜಗ್ಲಾಣೆಂ ಮಾರ್ಲಿಂ ಘುಡ್ಗಡೊ ಪಡ್ಲೊ
ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಮಾತ್ ದಿಸತ್ ನಾ

ಆಮ್ಚೊ ವೊಂಯೊ ತುಟೊನ್ ಪಡ್ಲ್ಯಾತ್
ಖುರಿಸ್ ಮೊಡುನ್ ಖಾಂಬೆ ಕೆಲ್ಯಾತ್
ಆಮ್ಚೆ ಗಾದೆ ಪಡಿಲ್ ಪಡ್ಲ್ಯಾತ್
ಪೆಲ್ಯಾಂಚೊ ಗಾಯೊ ಚರೊಂಕ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್

ಆಮ್ಚಿ ನೀದ್ ಆಮ್ಕಾ ಉರೊಂ
ವೊರಾಂ ಭಾರಾ ಸರೊನ್ ತೆರಾ ಜಾಲಿಂ
ಉಡೊನ್ ತರೀ ಕಿತೆಂ ಕರಿ
ನಿದೆ ಬಾಳಾ ತುಂ ನಿದೆ

22. भुत

एक्सुऱ्या काळके राती
पावसा मोड दाट जावन
जळती वात पेटवन दवरुन
हाती तींत घेवुन वोम्तां
घड्येन उदेता मेल्लें
मुखार आसचा केनवासार
आंगभर हिंव भरुन
कुडिभितर कांप भरुन
लोव उभी करुन
जुम जातानांच
आयलो पावसाराय
वाऱ्यान लोटुन हाडल्यो
उदका शेणो
मेल्ल्याचेर घाल्ताच्च
मेल्ल्याचो जीव निस्त्रोन वेताना
भुत हासालागलो

22. ಭುತ್

ಎಕ್ಸುರ್ಯಾ ಕಾಳ್ಕಿ ರಾತಿಂ
ಪಾವ್ಸಾ ಮೋಡ್ ದಾಟ್ ಜಾವ್ನ್
ಜಳ್ತಿ ವಾತ್ ಪೆಟವ್ನ್ ದವರ್ನ್
ಹಾತಿಂ ತೀಂತ್ ಘೆವುನ್ ಬೊಸ್ತಾಂ
ಘುಡ್ಯೆನ್ ಉದೆತಾ ಮೆಲ್ಲೆಂ
ಮುಖಾರ್ ಅಸ್ಚಾ ಕೇನ್‌ವಾಸಾರ್
ಆಂಗ್‌ಭರ್ ಹಿಂವ್ ಭರುನ್
ಕುಡಿಭಿತರ್ ಕಾಂಪ್ ಭರುನ್
ಲೋಂವ್ ಉಭಿ ಕರುನ್
ಜುಮ್ ಜಾತಾನಾಂಚ್
ಆಯ್ಲೊ ಪಾವ್ಸಾರಾಯ್
ವಾರ್ಯಾನ್ ಲೊಟುನ್ ಹಾಡ್ಲ್ಯೊ
ಉದ್ಕಾ ಶೆಣೊ
ಮೆಲ್ಲ್ಯಾಚೆರ್ ಘಾಲ್ತಚ್ಚ್
ಮೆಲ್ಲ್ಯಾಚೊ ಜೀವ್ ನಿಸ್ರೊನ್ ವೆತಾನಾ
ಭುತ್ ಹಾಸಾಲಾಗ್ಲೊ

23. कठीण

उदकांत पळे दोण उपयेता
खडपाक कितया ती ना
दऱ्यांत पळे मासो आसा
वांयत कित्याक तो येना

गांवा भितर गांव उरला
घरा भितर घराणें झरलां
कुटमा भितर मयपास जिरला
मोग म्हळळयाक जिवोच्च पुरला

सदां तेरसा चार वोरांचो
मनांत मात राग पेल्याचो
गळयार आरलुक्यो सरव सांतांच्यो
काळजांत आसा देव कोणाचो

वोताक सत्री कोणी धरता
वारयाक धरुंक मात कठीण
मनजात जांवक कोणी सक्ता
मनिस जांवक मात कठीण

23. ಕರೀಣ್

ಉದ್ಕಾಂತ್ ಪಳೆ ದೊಣ್ ಉಪ್ಯೆತಾ
ಖಡ್ಪಾಕ್ ಕಿತ್ಯಾ ತಿ ನಾ
ದರ್ಯಾಂತ್ ಪಳೆ ಮಾಸೊ ಆಸಾ
ಬಾಂಯ್ತ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ತೊ ಯೇನಾ

ಗಾಂವಾ ಭಿತರ್ ಗಾಂವ್ ಉರ್ಲಾ
ಘರಾ ಭಿತರ್ ಘರಾಣೆಂ ಇರ್ಲಾಂ
ಕುಟ್ಮಾ ಭಿತರ್ ಮಾಯ್ಪಾಸ್ ಜಿರ್ಲಾ
ಮೋಗ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾಕ್ ಜಿವೊಚ್ಚ್ ಪುರ್ಲಾ

ಸದಾಂ ತೇರ್ಸ್ ಚಾರ್ ವೊರಾಂಚೊ
ಮನಾಂತ್ ಮಾತ್ ರಾಗ್ ಪೆಲ್ಯಾಚೊ
ಗಳ್ಯಾರ್ ಆರ್ಲ್ಕ್ಯೊ ಸರ್ವ್ ಸಾಂತಾಂಚ್ಯೊ
ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಆಸಾ ದೇವ್ ಕೊಣಾಚೊ

ವೊತಾಕ್ ಸತ್ರಿ ಕೊಣೀ ಧರ್ತಾ
ವಾರ್ಯಾಕ್ ಧರುಂಕ್ ಮಾತ್ ಕರೀಣ್
ಮನ್ಜಾತ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಕೊಣೀ ಸಕ್ತಾ
ಮನಿಸ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಮಾತ್ ಕರೀಣ್

24. चार मुखां

प्रशांत वादाळ
थंड उजो
नितळ आभ्र
उचांवळ प्रितुम
लागंक लुटुन तळें नाचता
तागंक खुंटुन चंद्र हाम्ता
कोणा मायेचो पूत गी
खंयचा येमकोंडाचो भुतगी
फुलाची सोभाय
कांट्यान लुटल्या
फांट्याची आमसाण
देंटान चिवल्या
एका रुकाक
दोदोन सावळयो
एका तोंडाक
चाचार मुखां
संसार कित्याक
असोय निळसो
केन्ना धवो
म्हाका मात काळसो
दीश्ट कित्याक
आर्शाय गयरी
अगयानाचो परधो
उटयतगी कोणी तरी

24. ಚಾರ್ ಮುಖಾಂ

ಪ್ರಶಾಂತ್ ವಾದಾಳ್
ಥಂಡ್ ಉಜೊ
ನಿತಳ್ ಆವ್ರ್
ಉಚಾಂಬಳ್ ಪ್ರಿತುಮ್
ಲಾರಾಂಕ್ ಲುಟುನ್ ತಳೆಂ ನಾಸ್ತಾ
ತಾರಾಂಕ್ ಖಿಂಟುನ್ ಚಂದ್ರ್ ಹಾಸ್ತಾ
ಕೊಣಾ ಮಾಯೆಚೊ ಪೂತ್‌ಗಿ
ಖಿಂಯ್ಚಾ ಯೆಮ್ಕೊಂಡಾಚೊ ಭುತ್‌ಗೀ
ಫುಲಾಚಿ ಸೊಭಾಯ್
ಕಾಂಟ್ಯಾನ್ ಲುಟ್ಲ್ಯಾ
ಫಾಂಟ್ಯಾಚಿ ಆಮ್ಸಾಣ್
ದೆಂಟಾನ್ ಚಿವ್ಲ್ಯಾ
ಎಕಾ ರುಕಾಕ್
ದೊಮೋನ್ ಸಾವ್ಲ್ಯಾ
ಎಕಾ ತೊಂಡಾಕ್
ಚಾಚಾರ್ ಮುಖಾಂ
ಸಂಸಾರ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್
ಅಸೋಯ್ ನಿಳ್ಸೊ
ಕೆನ್ನಾ ಧವೊ
ಮ್ಹ ಕಾ ಮಾತ್ ಕಾಳ್ಸೊ
ದೀಶ್ಟ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್
ಆಶೀಯ್ ಗಯ್ರಿ
ಅಗ್ಯಾನಾಚೊ ಪರ್ದೊ
ಉಟಯ್ತ್‌ಗೀ ಕೋಣೀ ತರೀ

25. लजमांडीं

वुग्गयांचा तोंडांतलीं
वोटां सयत हीं वोडन चिंवतात
सुणयाक घाल्लें हाड सयत
आपल्या पोत्यांनी चेप्तात
कसलो अंगलाप हो
रचलेल्या देवाकी घडिभर
दोळे दांपिशें कर्चे न्हेसाप
हीं कितयाक न्हेस्तात
कसलीं पोजडी ही संस्क्रती
लज नात्लेली जात ही
मनशाकुळक नाड ही
हात दिल्लया हाताकच
घास मारतात
मना भितर कुसल्लें भगेनी
कूड नितळ दाखयतात
हीं जर वरि तर
उरिलं खंय लज्मांडीं

25. ಲಜ್ಮಾಂಡಿಂ

ಬುರ್ಗ್ಯಾಂಚಾ ತೊಂಡಾಂತ್ಲಿಂ
ಬೊಟಾಂ ಸಯ್ತ್ ಹಿಂ ವೊಡುನ್ ಚಿಂವ್ತಾತ್
ಸುಣ್ಯಾಕ್ ಘಾಲ್ಲೆಂ ಹಾಡ್ ಸಯ್ತ್
ಆಪಾಪ್ಲ್ಯಾ ಪೊತ್ಯಾಂನಿ ಚೆಪ್ತಾತ್
ಕಸಲೊ ಅಂಗಲಾಪ್ ಹೊ
ರಚ್ಲೆಲ್ಯಾ ದೆವಾಕೀ ಘುಡಿಭರ್
ದೊಳೆ ದಾಂಪಿಶೆಂ ಕರ್ಚೆಂ ನೆಸಾಪ್
ಹಿಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ನೆಸ್ತಾತ್
ಕಸ್ಲಿ ಪೊಜ್ಲಿ ಹಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ
ಲಜ್ ನಾತ್ಲೆಲಿ ಜಾತ್ ಹಿ
ಮನ್ಶ್ಯಾಕುಳಾಕ್ ನಾಡ್ ಹಿ
ಹಾತ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಹಾತಾಕ್‌ಚ್
ಘಾಸ್ ಮಾರ್ತಾತ್
ಮನಾ ಭಿತರ್ ಕುಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಭರೊನೀ
ಕೂಡ್ ನಿತಳ್ ದಾಖಯ್ತಾತ್
ಹಿಂ ಜರ್ ಬರಿಂ ತರ್
ಉರ್ಲಿಂ ಖಂಯ್ ಲಜ್ಮಾಂಡಿಂ

26. हीं कोणगाय

हीं कोणगाय
जल्म दिल्लया आवयकच गुंडयेक लोटचीं
पोसल्लया वापाक
माडाक वांधुन मार्चीं
अस्कत वडिलांचा
खांद्यक खुग्गि दिंवचीं

माट पडलेलीं
हीं कोणगाय
ग्चल्लया देवाचिंच्च
खेळकुळा कर्चीं
मत भेगि करुन
जात भ्रश्ट कर्चीं

हुन उदाक पडलेलीं
हीं कोणगाय
मनशापणाचो भंगोस्तळ
संभंदाचो कस्तळ
सगळें मस्तुन
आपल्यांचो गोळ कर्चीं

हीं कोणगाय
मत नात्लेलीं
गत नात्लेलीं
गर्ज आपली संत्तच
वाट पाटिं चोयनास्तां
खांट मारुन दावचीं

26. ಹಿಂ ಕೋಣ್ ಗಾಯ್

ಹಿಂ ಕೋಣ್‌ಗಾಯ್
ಜಲ್ಮ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಆವಯ್ಕ್‌ಚ್ ಗುಂಡ್ಯೆಕ್ ಲೊಟ್ಲಿಂ
ಪೊಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬಾಪಾಕ್
ಮಾಡಾಕ್ ಬಾಂಧುನ್ ಮಾರ್ಲಿಂ
ಅಸ್ಕತ್ ವಡಿಲಾಂಚಾ
ಖಾಂದ್ಯಾಕ್ ಖುರಿಸ್ ದಿಂವ್ಲಿಂ

ಮಾಟ್ ಪಡ್ಲೆಲಿಂ
ಹಿಂ ಕೋಣ್‌ಗಾಯ್
ರಚ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ದೆವಾಚೆಂಚ್
ಖೆಳ್ಕುಳಾಂ ಕರ್ಲಿಂ
ಮತ್‌ಭೆರಿ ಕರೂನ್
ಜಾತ್ ಭ್ರಶ್ಟ್ ಕರ್ಚಿಂ

ಹುನ್ ಉದಾಕ್ ಪಡ್ಲೆಲಿಂ
ಹಿಂ ಕೋಣ್‌ಗಾಯ್
ಮನ್ಶ್ಯಾಪಣಾಚೊ ಭಂಗೋಸ್ತ್ಳ್
ಸಂಭಂದಾಚೊ ಕಸ್ತ್ಳ್
ಸಗ್ಳೆಂ ಮುಸ್ತ್ಳುನ್
ಆಪ್ಲ್ಯಾಂಚೊ ಗೋಳ್ ಕರ್ಲಿಂ

ಹಿಂ ಕೋಣ್‌ಗಾಯ್
ಮತ್ ನಾತ್ಲೆಲಿಂ
ಗತ್ ನಾತ್ಲೆಲಿಂ
ಗರ್ಜ್ ಆಪ್ಲಿ ಸಂಪ್ತಾಚ್
ವಾಟ್ ಪಾಟಿಂ ಚೊಯ್ನಾಸ್ತಾಂ
ಜೊಟ್ ಮಾರುನ್ ದಾಂವ್ಲಿಂ.

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000067

27. सुरयो

हो सुर्यो
सकाळीं फुडें हिंवाचें राजवट देस्वाटायता
धर्तेर जियेंवचांक नवया हुर्पान भरता
जियेंवचीं नवी आशा जागयता
तो सुर्यो
दनपार अयिल्लोच्च
धर्गिचा हुलोपांत झळयता
सकाळीं पोळन गेल्लें हिंव सोभित दिस्ता

होच सुर्यो
सांज जाल्लिच्च
भांग्राळें रुप धेवुन
दर्यांत वुडोन गेल्लोच्च लोका मनां जिक्ता

तोच्च सुर्यो
आमास पुनव नाल्लंलो सुरयो
पावसा मोडानीं लिपयललो सुर्यो
म्हज्या संसारांत उदेचना कित्याक

27. ಸುರ್ಯೊ

ಹೊ ಸುರ್ಯೊ
ಸಕಾಳಿಂ ಫುಡೆಂ ಹಿಂವಾಚೆಂ ರಾಜ್ಸಟ್ ದೆಸ್ವಾಟಾಯ್ತಾ
ಧರ್ತ್ರಿರ್ ಜಿಯೆಂವ್ಚಾಂಕ್ ನವ್ಯಾ ಹುರುಪಾನ್ ಭರ್ತಾ
ಜಿಯೆಂವ್ಚಿ ನವಿ ಆಶಾ ಜಾಗಯ್ತಾ
ತೊ ಸುರ್ಯೊ
ದನ್ಪಾರ್ ಆಯಿಲ್ಲೊಚ್ಚ್
ಧಗಿಚಾ ಹುಲೊಪಾಂತ್ ಝುಳಯ್ತಾ
ಸಕಾಳಿಂ ಪೊಳ್ಳ್ ಗೆಲ್ಲೆಂ ಹಿಂವ್ ಸೊಭಿತ್ ದಿಸ್ತಾ

ಹೊಚ್ ಸುರ್ಯೊ
ಸಾಂಜ್ ಜಾಲ್ಲಿಚ್ಚ್
ಭಾಂಗ್ರಾಳೆಂ ರೂಪ್ ಘೆವುನ್
ದರ್ಯಾಂತ್ ಬುಡೊನ್ ಗೆಲ್ಲೊಚ್ಚ್ ಲೊಕಾ ಮನಾಂ ಜಿಕ್ತಾ

ತೊಚ್ಚ್ ಸುರ್ಯೊ
ಆಮಾಸ್ ಪುನವ್ ನಾತ್ಲಲೊ ಸುರ್ಯೊ
ಪಾವ್ಸಾ ಮೊಡಾನಿಂ ಲಿಪಯ್ಲಲೊ ಸುರ್ಯೊ
ಮ್ಹಜಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಉದೆಚ್‌ನಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್

ವಿಶ್ವ ಕೊಂಕಣಿ ಗ್ರಂಥಾಲಯ * WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY * 308

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

ಅ

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: ಚಾರ್ ಮುಖಾಂ
चार मुखां

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ____________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK FRESH & CLEAN

1. ಶ್ರೀ
2. ಶ್ರೀ
3. ಸಿಸ್ಟ್ರ
4. ಶ್ರೀ
5. ಶ್ರೀ
6. ಶ್ರೀ
7. ಶ್ರೀ

ಚಿತ್ರಿಕ್ ವಿವರಾಂಕ್ ಹೊ ವೆಬ್‌ಸಾಯ್ಟ್ ಪಳೆಯಾ
http: //www.ashawadi.itgo.com

ಸಾಹಿತಿಕ್ ಪರಿಚಯ್



ಶ್ರೀ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್,
ಅಜೆಕಾರ್

ನಾಟಕ್

- ಎದೊಳ್‌ಚ್ಯ್ಯಾ ಚಾರ್ ತುಳು / ಕೊಂಕ್ಣಿ ನಾಟಕ್ ಲಿಖಿನ್, ದಿಗ್ದರ್ಶನ್ ದೀವ್ನ್, ಖೆಳೊನ್ ಧಾಖಯ್ಲ್ಯಾತ್

ಸಾಹಿತಿಕ್ ವಾವ್ರ್

- 'ಕಾಣಿಕ್ ಪಂದ್ರ್ಯಾಳೆಂ' ಪತ್ರಾಚೊ ಸಹ ಸಂಪಾದಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಅಡೇಜ್ ವರ್ಸಾಂ ವಾವ್ರ್
- 'ಆಮ್ಚೊ ಯುವಕ್' ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮಹಿನ್ಯಾಳಾ ಪತ್ರಾಚಾ ಸಂಪಾದಕೀ ಮಂಡಳೆಂತ್ ದೋನ್ ವರ್ಸಾಂ ವಾವ್ರ್
- 'ಉದೆವ್ 'ಕೊಂಕ್ಣಿ ಹಾಪ್ತ್ಯಾಳ್ಯಾಚಾ ಸಂಪಾದಕೀ ಮಂಡಳಿಂತ್ ವಾವ್ರ್
- 'ಝುರ್' ಅಜೆಕಾರ್ ಫಿರ್ಗಜ್ ಪತ್ರಾಚೊ ಸಂಪಾದಕ್ ಜಾವ್ನ್ ದೋನ್ ವರ್ಸಾಂ ವಾವ್ರ್
- 'ಕುಳ್ಯಾರ್ಚೆಂ ದಾಯ್ಜ್' ಕುವೆಯ್ಟಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಬರವ್ಪ್ಯಾಂಚಾ ಎಕ್ತಾರಾಚಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಬುಕಾಚೊ ಸಂಪಾದಕ್ ಜಾವ್ನ್ ವಾವ್ರ್

ಬರ್ಪಾಂ

- ಎದೊಳ್‌ಚ್ಯ್ಯಾ ಪಾಂಚ್ ಕಾದಂಬರಿಯೊ ಲಿಖ್ಲ್ಯಾತ್ ತಾಂತ್ಲ್ಯೊ ಚಾರ್ ಕಾದಂಬರಿಯೊ ಫಾಯ್ಸ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್
- 120 ಚಾಕೀ ಅಧಿಕ್ ಮಟ್ವ್ಯೊ ಕಾಣ್ಯೊ ಕಾನಡಿ ಆನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಸೆಂತ್ ಲಿಖ್ಲ್ಯಾತ್
- ಆಕಾಶ್‌ವಾಣಿ ಮಂಗ್ಳುರಾಂತ್ ಮಟ್ವ್ಯೊ ಕಾಣ್ಯೊ ವಾಚ್ಲ್ಯಾತ್
- ಪನ್ನಾಸಾಂ ವಯ್ರ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತಾ ಲಿಖ್ಲ್ಯಾತ್
- ಇಂಗ್ಲಿಶ್ ಕವಿತಾ[http:// www. poetry.com/]ಹಾಂತುಂ ಫಾಯ್ಸ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್

ಬೂಕಾರೂಪಿಂ ಫಾಯ್ಸ್ ಜಾಲ್ಲಿಂ ಬರ್ಪಾಂ

- ಸಂಘರ್ಷ್ (ಚೊವ್ತಿ ಕಾದಂಬ)1991
- ಆಶಾವಾದಿ (ಮಟ್ವಿಕಥಾ ಸಂಗ್ರಹ್)2002
- ಚಾರ್ ಮುಖಾಂ (ಕವಿತಾಂ ಫೊಸ್)2002

ಅಂಕಣ್:

- ಬುಳ್ಬುಳೊ (ಉದೆವ್ - 1991-92)
- ಸತಾಂ ಆನಿ ಖತಾಂ (ರಾಕ್ಣೊ - 2002)
- ಮುಖಾಂ (ಮಾಂಯ್ ಭಾಸ್ - 2002) [http://www.maaibhaas.com]

ಪ್ರಕಾಶನ್ :

- ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನ್ [http://www.ashawadi.itgo.com/]